गुरूर्गुरूतमो धाम
NCTE

शिक्षण मंत्रालय
MINISTRY OF EDUCATION
सत्यमेव जयते

NATIONAL MISSION FOR MENTORING

# राष्ट्रीय मार्गदर्शन मोहीम

## ब्लूबुक

**Konkani / कोंकणी**


## राष्ट्रीय शिक्षक शिक्षण परिशद

जी-7, सेक्टर-10, द्वारका, नवी दिल्ली-110075

*राष्ट्रीय मार्गदर्शन मोहीम (एनएमएम) बोध चिन्न (लोगो) मार्गदर्शक आनी शिश्याची (मेण्टी) एक सहयोगी एजन्सी दाखयता जंय परस्पर वेवसायीक उदरगती खातीर क्षमताय वाडोवपाक शिकप, चिंतन आनी सहभागाची भावना वाडयतात. ह्या बोध चिन्नांत केसरी रंग सकारात्मकताय, आशावाद, गतिशीलताय, उत्साह आनी उमळशीक दाखयता आनी रॉयल ब्लू रंग बुध्दी, विश्वासपात्रताय, विश्वासार्हताय आनी जापसालदारकी दाखयता. हे सगळे गूण मार्गदर्शन करपा खातीर आवश्यक आसा*

**Dharmendra Pradhan**
Hon'ble Education Minister;
Skill Development and Entrepreneurship
Government of India
Shastri Bhawan
New Delhi-110001

**धमेन्र प्रधान**
मानादीक शिक्षण;
कौशल्य विकास आनी
उद्देजकताय मंत्री
भारत सरकार
शास्त्री भवन
नवी दिल्ली-110001



# संदेश

राष्ट्रीय शिक्षण धोरण (एनईपी) 2020 परिवर्तनकारी शिक्षणीक पद्दतीची कल्पना करता जी दरेका विद्यार्थ्या खातीर सर्वसमावेशक आनी समान शिकपाचें वातावरण तयार करपाक शिक्षकांक अधिकार दिता. पूण ही दृश्टी म्हत्वाच्या घटकाचेर आदारून आसा, ते म्हणल्यार: सशक्त शिक्षक.

आमच्या राष्ट्राचो फुडार घडोवपाक शिक्षक जी म्हत्वाची भुमिका करतात ताका हें धोरण मान्यताय दिता. हे दृश्टी कडेन जुळोवन घेवन, राष्ट्रीय मार्गदर्शन मोहीम (एनएमएम) भारतांतल्या सगळ्या शालेय शिक्षकांक मार्गदर्शक आदार दिवपाची मोख दवरता आनी शिक्षकांच्यो अध्यापन पद्दती सुदारपाक आनी तांची एकंदर वेवसायीक वाड आनी विकास हांतूंत भर घालपी आनी तांकां सक्षम करपी मार्गदर्शकांचें नेटवर्क तयार करूंक सोदता. ही मोहीम फकत आदाराचीच न्हय; ती संभाव्यतायांक मेकळीक दिवपाचीय आसा. खर आनी सातत्यपूर्ण मार्गदर्शना वरवीं शिक्षकांक आपल्या विद्यार्थ्यांच्यो शिकपांतल्यो विंगड विंगड गरजो पुराय करपा खातीर आपली कुशळटाय विकसीत करपाक आनी संस्कारीत करपाक मेळटली, आनी ते विद्यार्थ्यांच्या जिविताचेर सकारात्मक प्रभाव घालूंक शकतले.

राष्ट्रीय शिक्षक शिक्षण परिशदेन (एनसीटीई) एनएमएमाचेर ब्लूबुक तयार केलां. हो सर्वसमावेशक दस्तावेज एका हातपुस्तकापरस म्हत्त्वाचो आसा; शिक्षक आनी मार्गदर्शक ह्या दोगांय खातीर स्पश्ट उद्दिश्टां, प्रभावी रणनिती आनी वेव्हारीक मार्गदर्शक तत्वां सांगपी उत्कृश्टतायेची ही एक रुपरेखा जावन आसा. आमच्या शिक्षकांक तांच्या विद्यार्थ्यां मदीं 21 व्या शेंकड्यांतलीं कसबां वाडोवपा खातीर सुसज्ज करपाक, तशेंच मुखार येतल्या गतिशील संवसारांत फकत तिगून उरपीच न्हय, तर उदरगत सादपी अशी पिळगी घडोवंक एक संरचीत आराखडो उपलब्ध करून दिता.

हो उपक्रम चालीक लायिल्ले खातीर हांव एनसीटीईची मना काळजांतल्यान तोखणाय करतां. हो दस्तावेज शिक्षकांक आनी मार्गदर्शकांक, तांच्या शिकोवपांतले आनी शिकपांतले उत्कृश्टतायेचे दिकेन वाट दाखोवंक एक मोलादीक स्रोत म्हणून काम करतलो, असो म्हाका विश्वास आसा.

**धर्मेंद प्रधान**

NATIONAL MISSION FOR MENTORING

# संदेश



**अन्नपुर्णा देवी**
मानादीक शिक्षण राज्य मंत्री,
शिक्षण मंत्रालय,
भारत सरकार.

राष्ट्रीय शिक्षक शिक्षण परिशदेन (एनसीटीई) बारीकसाणीन रचिल्लें एनएमएमा वयलें ब्लूबुक, नाविन्यपूर्ण वाटचिरो थारता. शालेय शिक्षकांक शिश्य लेखून तांचेखातीर मार्गदर्शक म्हूण वेगवेगळया वेवसायिकांक मान्यताय दिवन, राष्ट्रीय मार्गदर्शन मोहीम (एनएमएम) शिक्षणाकडेन पळोवपाचो एक परिवर्तनकारी दृश्टीकोन मुखार हाडटा. गतिशील मार्गदर्शक-शिश्य संवादां खातीर तंत्रगिन्यानाचो वापर करून, एकामेकांचे वेवसायीक वाडीक आकार दिवपाक शिक्षकांचे अमूल्य भुमिकेचेर मोहीम भर दिता. हो दस्तावेज, हे सर्वार्थान नवे शिक्षक-केंद्रीत कार्यावळीं विशीं सर्वसमावेशक नदर दिवपांतल्यान एनसीटीई पंगडाच्या समर्पण-भावाचें पडबिंब थारता.

हांव तांच्या यत्नांची तोखणाय करतना आनी शिक्षकांचें सशक्तीकरण आनी आमच्या देशांत प्रबुद्ध शिक्षणाचो फुडार घडोपांत एनएमएमा कडेन अपेक्षेन पळयतां.

तुमकां यश आंवडेतां.

******************************************************************************

# संदेश



**संजय कुमार आयएएस**
सचीव
शालेय शिक्षण आनी
साक्षरताय खातें,
शिक्षण मंत्रालय,
भारत सरकार.

राष्ट्रीय शिक्षण धोरण (एनईपी), 2020 अध्यापन-अध्ययनांत लवचीकताय, सर्जनशीलताय आनी नवेपणाक चालना दिवन दर्जेदार शिक्षणाचेर भर दिता. शिक्षकां खातीर राष्ट्रीय मार्गदर्शन मोहीम (एनएमएम) वेवसायीक आनी तज्ञांक मंच दितली, जंय ते शिश्य शिक्षकां वांगडा मार्गदर्शक म्हूण गिन्यान, कुशळटाय आनी विशेशज्ञताय दिवंक शकतात आनी तांकां प्रभावी शिक्षक जावपाच्या प्रवासांत मजत करपाक शकतात. एनएमएमचेर ब्लूबुक मार्गदर्शनाचे संकल्पने सावन मार्गदर्शन कार्यावळीचे अंमलबजावणे मेरेन समग्र मार्गदर्शन प्रदान करता.

एनएमएमचेर ब्लूबुकाची संकल्पना आनी मुखार येवपाचे हे सहकार्यात्मक प्रक्रियेपासत हांव एनसीटीईक परबीं दिता.

शुभेच्छा.

# संदेश



**प्राध्यापक योगेश सिंग**
अध्यक्ष
एनसीटीई, नवी दिल्ली

एनईपी 2020, शिक्षणीक आकांक्षा पुराय करपाक प्रभावी शिक्षकांचे म्हत्वाचे भुमिकेचेर भर दिता. मार्गदर्शन, नाते संबंदाची शक्त वळखून, 21 व्या शेंकड्यांतल्या मागण्यां खातीर शिक्षकांक आनी फुडाऱ्यांक आदार दिता. राष्ट्रीय मार्गदर्शन मोहीम (एनएमएम) संरचीत मार्गदर्शन संबंदां वरवीं संस्थात्मक आदार दिवंक वचनबद्ध आसा. एनएमएमाचे ब्लूबुक, शिक्षकांक फुडाराक आकार दिवपाक, समिक्षात्मक विचार आनी अनुकूलतायेक चालना दिवपाक सक्षम करता. सगळ्या शिक्षकांनी हे संदीचो फायदो घेवचो, हे मोहिमेंत सक्रीय वांटो घेवचो अशें हांव आव्हान करतां.

हो दस्तावेज तयार करपा खातीर एनसीटीई पंगडान केल्ल्या अनुकरणीय वावरा खातीर हांव तांची मनापासून तोखणाय करतां. आमी सहकार्यान आमच्या शाळांनी आनी व्यापक शिक्षक समाजांत, मार्गदर्शन करपाची आनी आदार दिवपाची संस्कृती तयार करूया.

---

# संदेश



**केसंग वाय. शेरपा**
**आयआरएस**
वांगडी सचीव,
एनसीटीई, नवी दिल्ली.

शिक्षकांक राष्ट्रीय शिक्षण धोरण, (एनईपी) 2020 चो आधारस्तंभ मानून एनसीटीईन राष्ट्रीय मार्गदर्शन मोहीम (एनएमएम) सुरू केल्या. तंत्रगिन्यानाचो उपेग करून, एनएमएम भुगोलीक शिमो हुंपून आनी भौतीक आडमेळीं पयस करून अखंड 'मार्गदर्शक-शिश्य' संबंद वाडयता. हो अंकीय पूल वैयक्तीक गरजां प्रमाणें लागींचें आनी सातत्यान मार्गदर्शन शक्य करता. अणभवी वेवसायीक, मार्गदर्शक म्हूण शिश्यांक वास्तवीक सल्लो आनी सहयोगी माचयां वरवीं मार्गदर्शन करतात. एनएमएमाचें ब्लूबुक हे कार्यावळीची व्यापक वळख घडयता.

शिक्षकांक सशक्त करपी आनी भारतीय शिक्षणा खातीर उज्वल फुडार घडोवपी एनएमएमा खातीर फाटबळ दितल्या वरिश्ठांचे, समर्पीत एनसीटीई पंगडाचे आनी जाळवणदारांचे हांव उपकार मानतां.

# विषयसूची


प्रस्तावना I-V

विशय वळेरी VII

आकृत्यांची वळेरी X

तकट्यांची वळेरी X

कार्यकारी सारांश XI

**पाठ I: भारतांतलें शिक्षण**

1.1. भारतांतलें शिक्षण: सध्याची परिस्थिती 2

1.2. शिक्षकांची भुमिका 3

1.3. कठीण आनी उद्भवपी आव्हानां 4

1.4. प्रासंगीकता आनी संदर्भ 4

1.5. राष्ट्रीय शिक्षण धोरण (2020) मार्गदर्शना खातीर दृश्टी 4

1.5.1. विद्यार्थ्यां खातीर 5

1.5.2. शिक्षकां खातीर 5

1.5.3. शाळा प्रमुखां खातीर 5

1.5.4. शिक्षणीक प्रमुख आनी संस्थां खातीर 5

**पाठ II: मार्गदर्शनाची वळख**

2.1. मार्गदर्शनाची संकल्पना 8

2.2. मार्गदर्शनाचीं तत्वां 9

2.3. मार्गदर्शना कडेन संबंदीत आशिल्लीं सामान्य मिथकां 10

**पाठ III: राष्ट्रीय मार्गदर्शन मोहिमेची वळख**

3.1. राष्ट्रीय मार्गदर्शन मोहिमेची गरज 12

3.2. मोहीम कशी साध्य जातली? 12

3.3. मोहीमेचे अपेक्षीत परिणाम कितें? 15

**पाठ IV: मार्गदर्शना खातीर उपाय**

4.1. मार्गदर्शक निवड 18

4.1.1. मार्गदर्शक निवड प्रक्रिया 18

4.2. मार्गदर्शकाचे गूण 18

4.3. शिश्याचे गूण 22

4.4. मार्गदर्शक विकास 22

4.4.1. मार्गदर्शक प्रशिक्षण कार्यावळ 23

*4.4.1.1. मार्गदर्शनाची बुन्याद (कोर स्किल्स)* 23

*4.4.1.2. मार्गदर्शनाचे प्रकार* 24

4.4.2. मार्गदर्शकां खातीर सतत वेवसायीक विकास 26

4.5. मार्गदर्शना खातीर क्षेत्रां 27

4.6. मार्गदर्शक संवाद 30

**पाठ V: मार्गदर्शक कार्यावळीचे घटक**

5.1. कार्यवळीची रचना आनी नियोजन 34

5.1.1. मार्गदर्शकाची प्रगती 34

5.2. कार्यावळीचें वेवस्थापन 35

5.3. कार्यवळीचें संचालन 35

5.3.1. भुमिका आनी जापसालदारकी 36

5.3.2. मार्गदर्शक कार्यावळीच्या वेगवेगळया टप्प्यांच्या कामकाजा खातीर शिफारशी 37

5.4. कार्यावळीचें मुल्यांकन 38

5.5. संस्थागतकरण 41

5.6. प्रोत्साहन दिवप 42

5.7. मार्गदर्शक कार्यावळींक आव्हानां 42

5.8. कागाळ निवारण यंत्रणा 44

**पाठ VI: राष्ट्रीय मार्गदर्शक साधन-सुविधा**

6.1 वळख 46

6.2 रचनेचीं तत्वां 46

6.3 मार्गदर्शक-शिश्य संवाद सक्षम करप 48

6.4. तंत्रगिन्यानाचो घटक 48
6.5. एकीकृत मार्गदर्शन इंटरफेस 50
6.5.1. सोद क्षमताय 50
6.5.2. विस्वास 50
6.6. एकीकृत मार्गदर्शन नेटवर्क 50
6.7. प्लॅटफॉर्म प्रशासन 51
**पाठ VII: प्रवास आनी फुडली वाटचाल**
7.1 एनएमएम प्रवास 54
7.2 फुडली वाटचाल 54
**संदर्भ** **56**
**परिशिश्ट** **57**
परिशिश्ट -I 58
परिशिश्ट –II 61
परिशिश्ट –III 63
परिशिश्ट -IV 64

## आकृत्यांची वळेरी


आकृती 1.1: भारतांतलें शिक्षण 2

आकृती 1.2: शिक्षकांची भुमिका 3

आकृती 3.1: परस्पर संवादांत वांटो घेवपी आनी युनीट म्हूण ध्येया कडेन प्रगती करपी कलाकार 13

आकृती 3.2 मार्गदर्शक कलाकार 14

आकृती 3.3: जाळवणदारां मदीं परस्पर संवादाचीं तत्वां 14

आकृती 3.4: मोहिमेचे मुख्य टप्पे 15

आकृती 5.1: मार्गदर्शक प्रगती 35

आकृती 5.2: मार्गदर्शन करपा खातीर मुल्यांकन मेट्रिक्स 39

आकृती 6.1: राष्ट्रीय मार्गदर्शक साधन-सुविधांचे रचनेचीं तत्वां 46

आकृती 6.2: तंत्रगिन्यान साधन सुविधांचेर सक्षम केल्ली मुखेल क्रिया 48

आकृती 6.3: एकीकृत मार्गदर्शन नेटवर्क (यूएमएन)-घटक पांवड्यावेली दृश्टी 49

आकृती 7.1 : फुडली वाटचाल 55


## तकट्यांची वळेरी


तकटो 4.1: कुशळटाय, घटक आनी वर्णन 23

तकटो 4.2: मार्गदर्शनाची पद्दत 26

तकटो 4.3: मार्गदर्शक प्रशिक्षण आनी कुशळटायेचो पांवडो 27

तकटो 4.4: मार्गदर्शक आनी व्याख्येचीं क्षेत्रां 28

तकटो 5.1: जाळवणदार आनी जापसालदारकी 36

तकटो 5.2: उद्दिश्ट आनी प्रभाव सूचक 40

तकटो 5.3: प्रोत्साहनाचे प्रकार 42

तकटो 6.1: निकश आनी प्रस्न 51

# कार्यकारी सारांश

भारतांतल्या वेग-वेगळया पांवड्यां वयल्या शिक्षणीक कार्यकर्त्यांक विद्यार्थ्यांच्या शिक्षणाचे व्हड मोहिमेंत प्रभावीपणान योगदान दिवपा खातीर शिक्षकांक सतत अध्ययन आनी विकासाची गरज जाणवल्या. 'ब्लूबुक ऑन मेंटरींग' (मार्गदर्शनाचेर ब्लूबुक) हें, ही सतत वाडटी गरज भागोवपाच्या यत्नांचो परिणाम जावन आसा. आपल्या कामाचो अणभव आशिल्ली व्यक्ती (मार्गदर्शक) आनी त्या अणभवांतल्यान शिकूंक सोदपी व्यक्ती (शिश्य) हांचे मदल्या परस्पर संवादाचे संरचनेचो उल्लेखा करूंक वापरतात, ती 'मेण्टरिंग' (मार्गदर्शन) ही संज्ञा हो ह्या ब्लूबुकाचो गाभो आसा., वेवस्थेंत उपलब्ध आशिल्ल्या कुशळटायांचो लाव घेवपाक एक उपाय म्हूण 'मार्गदर्शना'चो सोद घेवन शिक्षण क्षेत्रांतल्या विविध भागींचो एक मार्गदर्शक म्हूण काम करपाचो यत्न हें पुस्तक करता.

हो ब्लूबुक सात वेगवेगळया पाठांनी वांटला-

**पयल्या पाठांत** भारतांतल्या शिक्षणाच्या दर्जा विशीं संक्षिप्त म्हायती दिवन फाटभूंय तयार केल्या. तातूंत शिक्षणांत चालू आशिल्ल्या देशव्यापी धोरणां आनी प्रकल्पांचे परिणाम निर्देशांक आनी मोखी हांचेर भर दिवन, आतां मेरेनच्या सरकारी उपक्रमांच्या यशाचो आसपाव केला. तशेंच शिक्षण वेवस्थेंतलीं नवीं आव्हानां स्पश्ट करून वांगडाच एनईपी 2020 क धरून मार्गदर्शनाची गरज भर दिवन मांडल्या.

**दुसरो पाठ** मार्गदर्शन हे संकल्पनेवटेन लक्ष ओडटा. मार्गदर्शन कार्यावळ खंयच्या तत्वांचेर कल्पितले ताचेर भर दिला. ह्या पाठांत मार्गदर्शना विशींच्या सामान्य मिथकांचोय उल्लेख आसा.

**तिसऱ्या पाठांत** 'राष्ट्रीय मार्गदर्शन मोहिमे'ची गरज उक्तायल्या. तातूंत मार्गदर्शन हे रचणुकेंत 'मार्गदर्शक', 'शिश्य' आनी 'प्रशासन' हे तीन मुखेल वावुरपी म्हूण प्रस्थापीत करून तांचे मदल्या परस्पर संवादा विशीं निवेदन आसा. मुखार वचून, हें ध्येय साध्य करपा खातीर हे मोहिमेची बांदावळ जावंक शकता ते वेगवेगळे टप्पे सुचयतात.

**चवथ्या पाठांत** मार्गदर्शकांची निवड, मार्गदर्शक आनी शिश्य हांचे गुणधर्म अशा वेगवेगळया आंगांचो खोलायेन विचार आसा. तशेंच मार्गदर्शन कुशळटायेची बुन्याद, मार्गदर्शनाचे प्रकार आनी मार्गदर्शकांच्या निरंतर वेवसायीक विकासाचेर तो लक्ष केंद्रीत करता. ह्या विभागांत मार्गदर्शन करपाक मेळपी म्हत्वाच्या क्षेत्रांचेरूय भर दिला.

**पांचव्या पाठांत** कार्यावळीची रचना आनी नियोजन, कार्यावळ वेवस्थापन, जाळवणदारांच्यो भुमिका आनी जापसालदारक्यो, मार्गदर्शन कार्यावळींच्या वेगवेगळया टप्प्यांच्या कार्यान्वयनाची शिफारस, कार्यावळीचें मुल्यांकन आनी शाळा/संस्थांचेर कार्यावळीचो परिणाम हांचेर भर दिला. तशेंच कार्यावळीचें संस्थात्मकीकरण आनी प्रोत्साहनीकरण हांचेर भर दिला.

**सव्या पाठांत** राष्ट्रीय मार्गदर्शन साधन सुविधांची (एनएमआय) उबारणी, ताचीं डिझायनिंग तत्वां आनी तंत्रगिन्यान घटक स्थापन करपाचेर भर दिला; तशेंच एकीकृत मार्गदर्शन संवाद (UMI) हाचोय उल्लेख केला.

**सातवो पाठ** एनएमएमच्या प्रवासा कडेन आनी फुडले वाटचाली कडेन लक्ष ओडटा.

NMM
NATIONAL MISSION FOR
MENTORING

पाठ
1

# भारतांतलें शिक्षण




# पाठ – I: भारतांतलें शिक्षण

## 1.1 भारतांतलें शिक्षण: सध्याची परिस्थिती

भारतांतल्या शिक्षणीक उपक्रमांक, प्रगती खातीर म्हत्वाचे परिणाम मेळोवपाक भोवचर्चीत तत्वांनी मार्गदर्शन केलां. हाचे पयलीं जायते नाविन्यपूर्ण शिक्षणीक उपक्रम हातांत घेतल्यात आनी तांणी अंमलबजावणेंतली किचकट आसतनाय सकारात्मक बदल घडोवन हाडपाक योगदान दिलां. मुखेलपणान भर दिला तो प्राथमीक स्तराचेर घटमूट बुन्याद मेळोवन दितना शिक्षण सार्वत्रीक उपलब्ध करपाचेर. भुरग्यां खातीर अनुकूल वातावरण तयार करप, जाका लागून भुरग्यांची भरभराट जातली आनी तीं बरे भशेन जुळोवन घेवन, आत्मविस्वासी प्रौढां सारकीं विकसीत जावपाक मजत जातली, ही पद्दत चलत आयल्या. शिक्षकां कडेन सुलभक म्हूण पळयत आनी सहयोगात्मक वातावरण निर्माण करीत, विद्यार्थ्यांक तांचे प्रगतीचो अदमास घेवपाक मजत करपी संरचना प्रभावी थारतात.

आपले भोंवतणचे शिक्षण वेवस्थेचो देखावो बदलूंक शकपी आनी गुणवत्ता, प्रवेश आनी न्याय्यताय हांचो समतोल सादपाच्या आव्हानांक तोंड दिवपा खातीर यंत्रणेक उर्बा दिवंक शकपी एक गरजेचो घटक म्हूण शिक्षकांची भुमिका मुखार आयल्या, हांतूंत दुबाव ना. युडीआयएसईचे तात्पुरते आंकडेवारे प्रमाणें भारतांतल्या शाळांनी सुमार 95 लाख शिक्षक आसात, जातूंत कायम, कंत्राटी आनी पॅरा शिक्षकांचो (शिक्षा मित्र आनी नियोजीत शिक्षक) आसपाव जाता. शिक्षणाचो दर्जो आनी राष्ट्रीय उदरगतींत तांचें योगदान थारावपाक शिक्षकांची तांक आनी चारित्र्य म्हत्वाचीं थारतात. एनईपी 2020 त शिक्षकांचो सततचो वेवसायीक विकास आनी तांकां प्रशिक्षण दिवपाचेर भर दिला. हातूंत शिक्षक शिक्षण कार्यावळींच्या साबार तांसांक मार्गदर्शन करपाक शिक्षक शिक्षणा खातीरची राष्ट्रीय अभ्यासक्रम चौकट (एनसीएफटीई) तयार करपाचो आसपाव आसा. 'शिक्षक सशक्तीकरणाच्या संवर्धनाक' लेगीत फाव तें म्हत्व दितले जांतूंत शिक्षकांक शाळेचीं ध्येयां आनी धोरणां थारावपाक वांटो घेवपाचो तेच परी *कितें आनी कशें शिकोवचें* हाचेर तांच्या वेवसायीक निर्णयाचो वापर करपाचो अधिकार दिवप गरजेचें जाता.




आकृती 1.1 भारतांतलें शिक्षण

एनईपी 2020 आनी संयुक्त राष्ट्रांचें एसडीजी 4 हांचेभितर सार्वत्रीक दर्जेदार शिक्षण आनी आजीवन शिकपाचें ध्येय हीं समान आसात. ते भायर, एसडीजी 4 चो भर, परवडपी आनी दर्जेदार शिक्षणाची सुलभताय सुदारप, शिक्षणांतलो भेदभाव पयस करप आनी बुन्यादी साक्षरता आनी गणिती क्षमताय जोडप हांचेर आसा. भारत सरकाराच्यो मुखेल येवजण्यो, समग्र शिक्षा आनी निपूण भारत हांचो उद्देश सगळया विद्यार्थ्यां खातीर सार्वत्रीक दर्जेदार शिक्षण मेळोवपाचो आसा. पोशण आदार, उच्च शिक्षण आनी शिक्षक शिक्षणा विशीं लक्ष्यीत येवजण्यो ह्या यत्नांक पूरक आसात. साधन सुविधा स्तराचेर आडमेळीं पयस करपा खातीर अंकीय शिक्षण, साधन सुविधा आनी क्षमताय वाडोवपा खातीर विभाग उबारपा खातीर संसाधनां पावोवप चलता.

शाळा बंद आसतना डिजिटल साधनांच शिक्षणीक जिवन रेखा आशिल्लीं आनी महामारेक लागून हे परिसंस्थेक ऑनलायन अध्ययन-अध्यापनाकडेन रोकड्यारोकडें जुळोवन घेवचें पडलें. अंकीय तंत्रगिन्याना वरवीं मेळिल्ली तांक महामारेच्या काळांत तात्पुरतो उपाय म्हूण उपकारा पडपापरस आनिकूय बरीच आदाराक पावली. हाका लागून शिकोवपी, फुडारी आनी एकंदर समाजाक लोक कितें, कशें, केन्ना आनी खंय शिकतात हाची आपली समज विकसीत करपाक मेळ्ळी. शिकोवप्यांची भुमिका गिन्यान दिवपा सावन गिन्यानाचे सहनिर्माते, मार्ग दाखोवपी (गायड), मार्गदर्शक आनी मुल्यांकन करपी म्हूण जावपा मेरेन पावली.

## 1.2 शिक्षकांची भुमिका

विद्यार्थ्यांक केंद्रस्थानार दवरून, शिकपाचे परिणाम साध्य करपाची जापसालदारकी सादारणपणान शिक्षकांचेर आसता. तशेंच आपले शाळेचें वा आपल्या वाठारांतल्या शाळांचें  सांस्कृतीक सत्व परिभाशीत करपांत तांचो म्हत्वाचो वांटो आसता. तांकां सतत खंयच्याय आव्हानांचेर प्रतिक्रियाशीलताये परस चड सक्रिय रणनितीक प्रतिसादा कडेन आपलें लक्ष केंद्रीत करचें पडटा. रचनात्मक बदल सुलभ करप आनी तो बदल हाडिल्ल्यान जावपी बदलांचें प्रभावीपणान वेवस्थापन करप ही सगळयांत चड प्रमाणांत व्यक्त केल्ली अपेक्षा आसा. शाळेंतली रचणूक, धोरणां, मंडळां वा पद्दती ह्यो निर्धारीत आशिल्ल्यान अध्यापन-अध्ययन प्रक्रियेंत शिक्षकांची म्हत्वाची भुमिका आसता.




आकृती 1.2: शिक्षकांची भुमिका

भूतकाळांतल्या आव्हानांतले अणभव सतत शिकपाची आनी कुशळटाय वाडोवपाची गरज परतून स्पश्ट करतात. क्षमताय वाडोवप आनी शिक्षकांच्या सतत वेवसायीक विकासाचेर भर दिवपी कितलेशेच उपक्रम हाचे पयलीं सुरू केल्यात. सतत शिकपाची आनी उदरगतीची व्याप्ती सक्षम करपी ह्यो जायत्यो रचना आसून लेगीत, आमचे शिक्षक अजूनय कांय आव्हानांक तोंड दियत आसात, जीं विकेंद्रीत आनी संदर्भीक क्षमतायवाडीक आडमेळीं थारतात.

## 1.3 कठीण आनी उद्भवपी आव्हानां

शिक्षकां खातीर अध्ययनाच्यो संदी ह्या काळांत उद्भविल्ल्या आवश्यकतायां प्रमाणें रचल्यात आनी सुचयल्यात. पूण तांकां तांच्या वेवसायीक विकासाचो एक भाग म्हूण चर्चा, सत्रां वा अध्ययन मंडळां निवडपाची संद खूब कमी खेपो मेळटा. समुदायां भितर फिशालकाय तटबंद गटांनी (silos) अस्तित्वांत आसा जाका लागून तिचो सगळ्यांत बरे तरेन लाव घेवप कठीण जालां.

ज्या शिक्षकांक शिकपाची आवड आसा, ते वेगवेगळ्या आनी वैविध्यपूर्ण फाटभुंयांचे आसतात. हाका लागून एकेच तरेच्यो अडचणी आशिल्ल्यांक लेगीत एकठांय काम करप, चर्चा करप आनी ती समस्या सोडोवपाची फिशालकाय विकसीत करप कठीण जायत आयलां. कठीण, नवीन आनी सतत विकसीत जावपी प्रस्न हाताळपाचो यत्न करतना एकाद्याक एकटेपण आनी निराशा दिसता, जाका लागून अंतीं परिस्थिती चड घुस्पागोंदळाची जाता. हे महामारेन, समान समस्यांचेर वाट काडूंक सातत्यान आपलीं शिकपां, अणभव, आव्हानां आनी उपाय हांचें दिवप-घेवप करतल्या एका बऱ्या समुदायाचें म्हत्व बळिश्ट केलां. केन्नाकेन्नाय शिक्षकांक आपल्या मुखार येवपी आव्हानांचेर उपाय सोदून काडपाक कळाव आनी विलंब जाता. हे विलंब उद्भवपाक मुखेलपणान कारण, शिक्षकांक विशिश्ट आदार दिवपाक सक्षम आसूं येता अश्यो माचयो (प्लॅटफॉर्म), तंत्रगिन्यान वा तज्ञ हांचेमेरेन कशें पावचें हें खबर नासता.

शिक्षक आपल्या भुमिकांचो एक भाग म्हूण जायत्यो जापसालदारक्यो घेतात. क्षमताय आनी वेवसायीक उदरगती खातीर वेळ वेवस्थापन करतना आपल्या भुमिकांची गरज जावन आशिल्ल्या कामांची संतुळा राखप, खासा करून जेन्ना तांची शारिरीक उपस्थिती गरजेची आसता तेन्ना, खूब आव्हानात्मक जाता.

## 1.4 प्रासंगीकताय आनी संदर्भ

शिक्षकांच्या वेवसायीक विकासाची गरज, भुगोलीक वाठार, भुमिका आनी ज्ञानक्षेत्रांप्रमाणें तांचे संदर्भ, आव्हानां आनी आवडी हांचेर आदारून, वेगवेगळी आसूं येता. देखून, दरेक शिक्षक आपल्यो समस्या सोडोवपा खातीर अभिमुखताय आनी संपर्कजाळाची एक वेगळी पद्दत सोदूंक शकता. कांय शिक्षक थेट सहकाऱ्यां कडल्यान शिकप पसंत करतात जाल्यार हेर कांय शिक्षक तसलेच तरेच्या आव्हानांक तोंड दिवपी समुदायाच्या एकाद्या व्हड गटा कडेन जोडून घेतात. कांय परिस्थितींत, तज्ञांचें मत तांकां विशिश्ट उपाय काडपाक सक्षम करता. ताका लागून, जंय शिक्षकांक वेवसायीक आदार मेळूं येता अशी एक माची हेच पासत गरजेची,

## 1.5 राष्ट्रीय शिक्षण धोरण (2020) मार्गदर्शना खातीर दृश्टी

एनईपी 2020 त दर्जेदार शिक्षण ह्या एसडीजी 4 कडेन जुळोवन घेवंक शिक्षण रचणुकेचे सगळे पैलू सुदारपाचो प्रस्ताव आसा[1]. परिणामांचो दर्जो सुदारपा खातीर वेगवेगळ्या पांवड्यांर एक उपाय म्हूण मार्गदर्शन करपाचो प्रस्ताव आसा.

[1] Ministry of Human Resource Development. (2020, July 29). National Education Policy 2020. Government of India

### 1.5.1 विद्यार्थ्यां खातीर

शाळा सोडपाचें प्रमाण उणें करपाच्या आनी सगळ्यांक शिक्षणाची सुलभताय मेळची हाची खात्री करपाच्या यत्नांत, शालेय विद्यार्थ्यांक आदले विद्यार्थी आनी समुदाय वांगडी मार्गदर्शन करतले, जाका लागून अध्ययन उपलब्धींनी वाड आनी शाश्वत आवड निर्माण जातली.

### 1.5.2 शिक्षकां खातीर

एनईपी 2020 शिक्षक तयार करपाची प्रक्रिया "उत्कृश्ट मार्गदर्शकांचे नदरेखाला भोवविद्याशाखी नदर आनी गिन्यान, स्वभाव आनी मुल्यांची निर्मिती आनी कृतीचो विकास" म्हूण मानून घेतल्या[2]. देखून, हें धोरण सगळ्याच पांवड्यांर मार्गदर्शन हें शिक्षक उदरगती खातीर एक आदार साधन म्हूण प्रस्तावीत करता.

अ. शालेय शिक्षण खात्याच्या क्लस्टर संसाधन केंद्रां वरवीं आंगणवाडी/बालवाटिकांतल्या ईसीसीई शिक्षकां खातीर एक मार्गदर्शन संरचना स्थापन करपाची आनी तेच बरोबर म्हयन्याळी बसका घेवन सतत मुल्यांकन करपाची सुचोवणी केल्या. वेवसायीक पात्रताय आशिल्ले ईसीसीई शिक्षणतज्ञ तयार करपा खातीर दीर्घकालीन प्रस्तावांत वेवसायीक प्रशिक्षण, मार्गदर्शन यंत्रणा आनी करीयर नकाशे तयार करप इतल्याचोय मेळ घालून वापरतले.

आ. सेवा-काळांतलें प्रशिक्षण घेतल्या शिक्षकां खातीर आनी आपली पात्रताय वाडोवंक सोदतल्या सेवेंत आशिल्ल्या शिक्षकां खातीर, वेव्हारीक प्रशिक्षणा वांगडाच मार्गदर्शनाची एक फावशी, घटमूट मार्गदर्शनाची मांडणी करतले.

इ. उत्कृश्ट वेवसायिकांच्या पंगडाच्या आदारान, शिक्षकांक दीर्घकालीन वेवसायीक आदार दिवपा खातीर एक राष्ट्रीय मार्गदर्शन मोहीम स्थापन करतले.

### 1.5.3 शाळा प्रमुखां खातीर

अध्यापन-अध्ययन प्रक्रियेचें वेवस्थापन करपाक, सतत गुणवत्ता सुदारपा खातीर नेम थारावपाक, शिक्षक उदरगती खातीर शाश्वत आदार दिवपाक आनी एक सहयोगी शिक्षण संघटणा तयार करपाक शिक्षणीक प्रमुखांची क्षमताय वाडोवपा खातीर मार्गदर्शक संरचना सुचयता.

### 1.5.4 शिक्षणीक प्रमुखां आनी संस्था खातीर

एनईपी 2020, शिक्षणीक फुडाऱ्यांक आसपावन घेवन शिक्षणीक संस्थांनी मार्गदर्शन करपाचे गरजेचेर भर दिता. उच्च शिक्षणीक संस्थां खातीर एनईपी 2020 मुखेलपणान प्रभावी प्रशासन आनी बरें फुडारपण करपा खातीर मार्गदर्शना वरवीं तांची फेर रचणूक आनी एकत्रीकरण करपाचेर भर दिता.

[2] Ministry of Human Resource Development. (2020, July 29). National Education Policy 2020. Government of India

अ. उच्च शिक्षण संस्थां भितर सशक्तीकरण आनी स्वायत्त नवनिर्मणेची संस्कृताय वाडोवपा खातीर, श्रेणीबद्ध मान्यताय दिवपाची यंत्रणा स्थापन करतले, जाचे खातीर म्हाविद्यालयांक बेंचमार्क स्तराचेर उबारपाक मार्गदर्शन दितले. दरेक विद्यापीठ आपल्या संलग्न महाविद्यालयांक "शिक्षणीक आनी अभ्यासक्रमा विशीं, अध्यापन आनी मुल्यांकन; प्रशासन सुदारणा; अर्थीक घटमूटपण; आनी प्रशासकीय कार्यक्षमताय," हातूंत क्षमतायो विकसीत करूंक मार्गदर्शन करतलें, जाका लागून निमाणें तीं स्वायत्त पदवी दिवपी महाविद्यालयां जावंक पावतलीं.

आ. ते भायर, एनआरएफाची एक मुखेल भुमिका म्हणल्यार सगळया मळांचेर दर्जेदार शिक्षणीक संशोधनाक उत्प्रेरणा दिवपा खातीर शिक्षणीक संस्थांक मार्गदर्शन करप.

एनईपी 2020 वरवीं दिल्ल्या शिफारशीं वांगडाच, भारतांतल्या पुराय शिक्षणीक परिवेवस्थेंत वेगवेगळया कामां खातीर मार्गदर्शन रचना स्थापन करपाक खूब वाव आसा. वेगवेगळया लावधारकांकडेन आशिल्लें गिन्यान आनी फिशालकायेचें भांडार, शिक्षणीक परिवेवस्थेंतल्या वेगवेगळया विभागांनी माहिती आनी मार्गदर्शन हांचो प्रभावीपणान आनी कार्यक्षमतायेन प्रसार करपाक वापरूं येता.

# पाठ II मार्गदर्शनाची वळख



# पाठ II : मार्गदर्शनाची वळख

## 2.1. मार्गदर्शनाची संकल्पना

मार्गदर्शन – आपूण कितें करतां तातूंत अणभवी अशी व्यक्ती आनी त्या अणभवांतल्यान शिकपाची इत्सा आशिल्ल्यो व्यक्ती हांचे मदल्या संवादाचें वर्णन करपा खातीर हो शब्द खूब पयलीं सावन वापरतात. मार्गदर्शक आनी शिश्य[3] ह्या दोगांय खातीर वैयक्तीक आनी वेवसायीक विकासाचो हो एक बरो मार्ग अशें मानतात. ह्या संवादांत शिश्याच्या प्रस्नांक जाप दिवप, आदार दिवप, खोलायेन समुपदेशन करप, कठीण आनी आव्हानात्मक प्रस्न सोडोवप आनी हेर गजालींचो आसपाव आसूं शकता. मार्गदर्शक नातें म्हळयार एक दीर्घ, संरचीत सहजीवी संबंद,जो समान मळावयल्या वेवसायिकां मदीं सानुकुलीत संवादांतल्यान मुखेलपणान शिश्याच्या ध्येयाचे दिकेन वेवसायीक विकास घडयता.

**<u>मार्गदर्शन-शिश्याच्या नात्यांची (संबंदांची) काणी</u>**

मार्गदर्शनाची मुळां संवसारभर प्राचीन इतिहासांत आसात. "मॅण्टर" ह्या इंग्लीश उतराचो पयलो नोंद केल्लो पुरावो एका ग्रीक ग्रंथांत आयला. महाभारतांत श्रीकृष्णान अर्जुनाक धर्म मार्गाचेर चलपाचें आनी झुजाच्या मैदानाचेर आपलीं कर्तव्यां उजूपणान करपाचें मार्गदर्शन केलें. बौद्ध धर्मांतल्या पद्मसुत्रांत मार्गदर्शक-शिश्य संबंद मूलभूत मानला, "लोकांच्या सुखा खातीर एकठांय येवन काम करपाची आनी तांकां दुख्खांतल्यान मुक्त करपाची सामायीक प्रतिज्ञा" आसा.[4]

मार्गदर्शन हें व्यक्तीं मदलो एक सामायीक संवाद म्हूण मांडलां, जंय एकलो विचार प्रवर्तक प्रस्न मांडटा आनी दुसरो चर्चे वरवीं विश्लेशणात्मक विचारपद्दतीक चालना दिवपाचे सॉक्रेटीक पद्दती प्रमाणें स्वताचे प्रस्न विचारूंक व्यस्त आसता. भारतीय इतिहासांतल्या शिक्षणांत मार्गदर्शनान म्हत्वाची भुमिका गुरुकूल पद्दतीवरवीं केल्याचें दिसून येता. मॅण्टर (Mentor) हो मार्गदर्शक (गुरू) आनी मॅण्टी (Mentee) हो शिश्य आसतालो. ही प्रणाली शिश्यांक प्रेरणा आनी प्रोत्साहना वरवीं मार्गदर्शन करून तांकां तांची क्षमताय साकार करपाक लागीं पावपाक मजत करताली[5]. पाटलीपुत्राचो राजा तशेंच एक म्हान सम्राट जावपा खातीर चाणक्य हांणी चंद्रगुप्त मौर्याक दिल्लें मार्गदर्शन साबार साहित्यीक संदर्भांनी नमूद केलां.

प्राचीन इतिहासांतल्यान मुखार वतना, आधुनीक इतिहासांतल्या भोवशीक मळावयल्या सगळया यशस्वी व्यक्तींच्या जिवितांत तांच्या मार्गदर्शकांची भुमिका म्हत्वाची थारल्या - अलेक्झांडर द ग्रेटाक मार्गदर्शन करपी एरिस्टॉटल सावन मार्टिन ल्युथर किंग हांका मार्गदर्शन करपी डॉ. बेंजामीन एलिजा मेज हांचो हातूंत आसपाव जाता. अध्ययन आनी कुशळटाय निर्मणेंत एक म्हत्वाची आनी प्रभावी पद्दत म्हूण मार्गदर्शन आतां परतून उदयाक येवपाक लागलां.[6]

---

[3] Together Platform. “Mentor Handbook.” Together Platform

[4] Soka Gakkai. (2020). The Oneness of Mentor and Disciple. Soka Gakkai (Global).

[5] Kukreja, S., Arora, R., & Singh, T. (2020). Mentorship Program: Modern Outlook of Traditional Knowledge. International Journal of Applied & Basic Medical Research.

[6] Hansman, C. A. (2002). Critical Perspectives on Mentoring. Center on Education and Training for Employment, College of Education, The Ohio State University.

वैयक्तीक आनी वेवसायीक गरजां प्रमाणें वापरिल्लीं मार्गदर्शनाचीं कांयशीं सदळ रुपांतरां आसूं येतात, पूण ताची व्याख्या अशी केल्या कीं *"लोकांक तांच्या शिकपाचें वेवस्थापन करपाक आदार दिवप आनी प्रोत्साहन दिवप जाका लागून ते आपली क्षमताय चडांत चड वाडोवंक शकतले, कसबां विकसीत करूंक शकतले, तांची कामगिरी सुदारूंक शकतले आनी जावंक सोदता तसली व्यक्ती जावंक शकतले."*[7]

## 2.2 मार्गदर्शनाचीं तत्वां

संवादा वेळार वांटेकारांच्या गरजांक अनुरूप मार्गदर्शन विविध प्रकारांचें आसूं येता, पूण कांय मार्गदर्शक तत्वांचे संरचनेचें सार तिगोवन दवरपाक मदत करूंक शकतात. जेन्ना मार्गदर्शक आनी शिश्य ह्या दोगांयची प्रक्रियेंत गुंतवणूक जाता तेन्ना मार्गदर्शक संरचना सगळयांत चड यशस्वी जातली. खंयचेय मार्गदर्शक संरचनेच्या वांटेकारांचे गुंतवणुकीक चालना दिवपी तत्वांची हांगा मुखार दिल्ली वळेरी नोल्स[8] हाणीं प्रचारीत केल्ल्या प्रौढ-अध्ययन तत्वां कडेन सुसंगत जायत अशे तरेन रचल्या.

अ. शिश्य-निर्देशीत: शिश्यांक तांच्या अध्ययनाचें नियोजन, अंमलबजावणी तशेंच मुल्यांकन करपाच्या प्रक्रियांनी आसपावन घेवंक जाय. नातें संबंद शिश्यान चलोवपाक जाय आनी आपले उदरगती खातीर वाडटी जापसालदारकी घेवपाक ताका प्रोत्साहन दिवपाक जाय. मार्गदर्शकान थारायल्ली कार्यसूची वा सत्ती ही मार्गदर्शक संवादाची प्रेरक शक्त आसपाक जायना. मार्गदर्शकान शिश्याक आपलीं उद्दिश्टां थारावपाक, आव्हानां सोदून काडपाक आनी शिश्याच्या गरजां प्रमाणें प्राधान्यक्रम थारावपाक मार्गदर्शन करपाक जाय.

आ. व्युत्पन्नः शिश्याच्या जिविताच्या अणभवांचो विचार मार्गदर्शन प्रक्रियेंत जावंक जाय. तेवरवीं शिश्यांक तांच्या अणभवांचेर चिंतूंक मेळूंक जाय.

इ. अनुप्रयोगाभिमुख: मार्गदर्शन प्रक्रियेंतल्यान वास्तवीक जिणेच्यो समस्या आनी/वा प्रक्रियांनी होलमल्ल्यो बारीकसाणी चालीक लावपाक मजत जावंक जाय.

ई. सुविधादिणें: मार्गदर्शकाचें पुराय लक्ष, शिश्याक एक स्व-निर्देशीत, व्युत्पन्न आनी अनुप्रयोगाभिमुख मार्गदर्शन अणभवा खातीर गरजेच्या अटींक चालना दिवपी आनी आदार दिवपी अवकाश सहजपणान मेळपाचेर आसपाक जाय.

उ. सुरक्षीत: सगळया वांटेकारां खातीर मार्गदर्शक अणभव ऐच्छीक आसूंक जाय, जाल्यारय हे अवकाश सुरक्षीत करपा खातीर सतत यत्न गरजेचे. संरचनेंतल्यान विश्वास, गोपनीयता, परस्पर आदर आनी संवेदनशीलताय प्रस्थापीत करपाक मुभा जाय. मार्गदर्शकांनी शिश्यांकडेन तांचेमदल्या अधिकारांतलें अंतर पयसावंक तांचेमदल्या वेव्हारांतल्यो शिमो आनी मुळावे नेमा हांचेर मान्यतायेसावन आरंभ करूंक जाय.

[7] Parsloe, E., & Leedham, M. (2009). Coaching and mentoring: Practical conversations to improve learning. Kogan Page Publishers.
[8] Knowles, M. S. (1980). The modern practice of adult education: From pedagogy to andragogy. Englewood Cliffs, NJ: Cambridge Adult Education

ऊ. सहजिवी (सिम्बायोटीक): मार्गदर्शन करपाचे प्रक्रियेचें पुराय लक्ष, शिश्य आनी मार्गदर्शक ह्या दोगांय खातीर सतत विकास सादपाचेर आसूंक जाय. ते गरज पडटा तेन्ना मार्गदर्शक संवाद फुडें व्हरपा खातीर एकामेकाचो सल्लो आनी/वा आदार घेवंक शकतात. हे प्रक्रियेंतल्यान आपल्याक फायदो जातलो हें मानून घेतल्यार मार्गदर्शकांक परस्पर संवादाचो सगळयांत चड फायदो जातलो.

## 2.3. मार्गदर्शना कडेन संबंदीत आशिल्लीं सामान्य मिथकां

मार्गदर्शना कडेन संबंदीत आशिल्लीं सामान्य मिथकां सकयल दिल्यांत:

अ. **मार्गदर्शन नात्यां संबंदांचो फायदो फकत शिश्याक जाता.** मार्गदर्शन ही एक सहजिवी वेवस्था जातूंत शिश्याक चड स्पश्ट फायदे दिसले तरी मार्गदर्शक आनी शिश्य दोगूय एकामेकां कडल्यान शिकतात.

आ. **मार्गदर्शक नातें वैयक्तीक रितीन आसप गरजेचें आसा.** मार्गदर्शना खातीर एकामेका सामखार रावन संवाद सादपाचे खाशेले फायदे आसात, मात मार्गदर्शक संबंद प्रस्थापीत करपाक, असमकालीक आनी ऑनलायन पद्दतींचोय वापर करूं येता.

इ. **शिश्याक एका वेळार फकत एकूच मार्गदर्शक आसूं येता.** वेगवेगळे मार्गदर्शक आपलें खाशेलें गिन्यान आनी कसबां हांची मार्गदर्शन संबंदांत भर घालतात आनी हाका लागून व्यक्तिचो वेवसायीक अणभव बरोच सुदारपाक शकता.


ई. **खंयच्याय मार्गदर्शन नातेंसंबंदांत जाय तेन्ना जाय तसो प्रवेश मेळूंक शकना.** मार्गदर्शन नातें संबंद सैमीक रितीन विकसीत जाता आनी आवश्यकते प्रमाणें ताचो लाब घेवं येता. एक संरचीत मार्गदर्शन नातेंसंबंद जातूंत एक पूर्वनिर्धारीत वारंवारताय आनी निमाणें पुराय करपाच्या उद्दिश्टांची वळेरी आसपावतात .

उ. **मार्गदर्शक शिश्या परस पिरायेन व्हड आसूंक जाय.** मार्गदर्शक निवडपाचो आदर्श मार्ग म्हणजे तांची फिशालकाय, क्षमतायो, विस्वासपत्रां आनी एकठांय शिकपा खातीर मनोभूमिका हांच्या आदारान तांचें मुल्यांकन करप.

ऊ. **एखादी व्यक्ती एक तर मार्गदर्शक वा शिश्य आसूं येता.** स्वता फळादीक मार्गदर्शन नातेंसंबंद निर्माण करपाक गरजेचीची कसबां आत्मसात करपा खातीर, मार्गदर्शकांक स्वताचे मार्गदर्शक आवश्यक आसतात. मार्गदर्शकांक जायते फावट स्वताचे मार्गदर्शक आसतात जांणीं तांकां तांच्या वेवसायीक विकासांत मदत केल्ली आसता.

# पाठ III

# राष्ट्रीय मार्गदर्शन मोहिमेची वळख



# पाठ III: राष्ट्रीय मार्गदर्शन मोहिमेची वळख

राष्ट्रीय मार्गदर्शन मोहीम (एनएमएम) परस्पर वेवसायीक उदरगती खातीर विचारांचे संरचीत देवघेवीक चालना दिवपा खातीर विद्यमान आशिल्ल्या संसाधनांचो लाव घेवन भारतीय शिक्षण प्रणालीचो जलद विकास करप सोंपें करतली. ह्या अनुशंगान, एनसीटीईन शालेय शिक्षकांमदीं गिन्यान, कुशळटाय आनी मुल्यांचें संपादन आनी देवाण-घेवाण सुदारपा च्या वावरांत मार्गदर्शना खातीर राष्ट्रव्यापी मोहिमेचो प्रस्ताव मांडला.

## 3.1. मार्गदर्शन करपा खातीर राष्ट्रीय मोहिमेची गरज


अभूतपूर्व मागण्यांच्या आनी आव्हानांच्या आयच्या काळार, शिक्षकांक नव्या उपायांची गरज आसा. खासा शिक्षणांतूच आपल्या सांगात्यांच्यो समस्या सोडोवपाक आनी समवयस्कांची क्षमताय वाडोवपा खातीर योगदान दिवपाचें गिन्यान आनी कसबां आशिल्ल्या शिक्षणांतल्या उपदेशकांचो समुदाय तज्ञांनी भरला. सतत बदलत आशिल्ल्या वातावरणा कडेन जुळोवन घेवपाक सक्षम आशिल्ल्यो प्रणाली, आपल्या नागरिकांक वैयक्तीक आनी वेवसायीक जिवीत जगपाक सक्षम करपा खातीर कसबांचें योग्य मिश्रण दिवंक शकतात. हातूंतल्यान समावेशी आनी शाश्वत अर्थीक वाड जाता. ताका लागून, मार्गदर्शन प्रणाली विद्यमान आशिल्ल्या उणावांचेर चड विकेंद्रीत पद्दतीन उपाय काडटा. हीं अंतरां, फिशालकाये मेरेन पावप, निरंतर वेवसायीक विकास, एकेच तरेचे परिस्थितींतल्या समवयस्कां कडेन संपर्क सादप आनी क्रॉस-लर्निंगाचो लाव घेवपाखातीर व्यासपीठ नासप हांतूंत आसात. मार्गदर्शन सगळयांक अणभवी वेवसायिकां वांगडा अध्ययनाची संद दिता. मार्गदर्शक-शिश्य परस्पर संवादांत वांटो घेवपाचे वेगवेगळे मार्ग शिक्षकांक कुशळटाय आनी क्षमताय वाडोवंक सक्षम करूंक शकतात. हातूंतल्यान तज्ञां वांगडा नेटवर्क करपाक, अध्ययन आनी उत्कृश्ट पद्दतींची देवाण-घेवाण करपा खातीर मंचांनी वांटो घेवपाक आनी शालेय फुडारपण आनी वेवस्थापन, अभ्यासक्रम, अध्यापनशास्त्र, शिक्षणीक धोरणां आनी मुल्यांकन आदी वेगवेगळया क्षेत्रांनी निश्कर्शांचो प्रसार करपाची संद दिता.

माहिती आनी अध्ययन श्रेणीबद्ध, एकदिशीय, वयल्यान सकयल प्रवाहीत, हे रितीन चड करून प्रशिक्षण कार्यावळी म्हूण रचिल्लें हीं सध्याचे शिक्षण वेवस्थेंत प्रचलीत दुख्खां आसात. मार्गदर्शनाक पदानुक्रमाच्यो शिमो कमी करपाची आनी मूलभूत प्रतिमान बदल घडोवन हाडपाची एक संद मेळटा. ताका लागून शिकप चड प्रमाणांत समवयस्क आनी समुदायाच्या फुडारपणा खाला जातलें. तशेंच अध्ययन चड वैयक्तीक आनी सातत्यान जातलें.

*मार्गदर्शनाक लागून भागधारकांखातीर एक सहयोगी एजन्सी निर्माण जाता जंय तो समुदाय अध्ययन, चिंतन आनी क्षमताय निर्मणेचे नदरेन देवाण-घेवाणीची भावना वाडयता.*

## 3.2 मोहीम कशी साध्य जातली?

एक समान ध्येय साध्य करपा खातीर कितलेशेच घटक संवाद सादतात अशें हे मोहिमेचें वर्णन करूं येता. ताची अंमलबजावणी शिक्षण क्षेत्रांतल्या सगळया स्तरांचेर जावंक शकता.





आकृती 3.1: परस्पर संवादांत वांटो घेवपी आनी एक घटक म्हूण ध्येया दिकेन प्रगती करपी सहभागी

## सहभागी

हे मार्गदर्शन मोहिमे खातीर मार्गदर्शक आनी शिश्य हे मुखेल सहभागी आसात. शिश्य हे एकाद्या मळार वेवसायीक विकास करूंक सोदतले शिक्षण मळावयल्या एका विभागांतले लोक आसतात. मार्गदर्शक हें त्याच वा ताचे वयल्या विभागांतले आसतात, जे कांय काळा सावन त्या एकाच मळार वेवसायीक विकास सोदतात आनी "साधनेक" फाव तशी चर्चा आनी संभाशणांनी सोंपेपणां हाडपांत पारंगत आसतात.


जरी मार्गदर्शक आनी शिश्याच्यो भुमिका ल्हान प्रमाणांत मार्गदर्शन कार्यावळी आयोजीत करपाक पुरोश्यो आसूं येतात, तरिकय भोव व्हड प्रमाणांत मार्गदर्शन रचणुको सुलभ करपाक आनी तिगोवन दवरपा खातीर हे मोहिमेंत एक तिसरो घटक आसता. मार्गदर्शक आनी शिश्य हांचे मदीं जावपी सगळ्या संवादांचो दर्जो आनी वारंवारताय सातत्यान सुदारपाची जापसालदारकी *प्रशासकां*ची (व्यक्ती वा गट) आसता. हाचे भायर, ते मार्गदर्शन रचणुकेचो सतत विकास आनी ते परिवेवस्थे वरवीं तिचें संस्थात्मकीकरण करपाची खात्री करतात. शिक्षण परिवेवस्थेंतले खंयचेय मार्गदर्शन कार्यावळीचें प्रमाण विशाळ आसपाची शक्यताय आशिल्ल्यान, मार्गदर्शनाचो सगळ्या सहभागींक एक अखंड अणभव मेळचेपासत, प्रणालींतल्या हेर भागीदारांक तंत्रगिन्यान आनी ऑनलायन प्लॅटफॉर्म विकसीत करपाची भरपूर संद आसा.




आकृती 3.2 मार्गदर्शनाचे सहभागी

ह्या सहभागीं मदले परस्पर संवाद मुखेलपणान गिन्यान, कसबां, मुल्यां आनी उत्कृश्ट पद्दती वांटून घेवपा भोंवतणी केंद्रीत आसतले. देखीक, नव्या शिक्षकांच्या अभिमुखीकरणा खातीरचे उत्कृश्ट पद्दती विशीं चर्चा सुलभ करपा खातीर शिश्यांच्या पंगडा कडेन संभाशणांत एक मार्गदर्शक वांटो घेता; संरचनेचो प्रशासक निदान-विशय आदारीत चर्चा कशी सुलभ करची हाचेर कुशळटाय वाडोवपाच्या सत्रांत मार्गदर्शकाक आसपायता.

परस्पर संवादाची परिणामकारकताय चार घटकां वरवीं थारता – ती म्हणल्यार आश्वासन, संमती, संरचना आनी साधनां.





आकृती 3.3: भागीं मदीं परस्पर संवादाची तत्वां

## 3.3 मोहिमेचे अपेक्षीत परिणाम कितें?

पुराय भारतीय शिक्षण प्रणालींत गिन्यान, कुशळटाय आनी मुल्यां संपादन आनी हस्तांतरण सुदारपाचें समान ध्येय साध्य करपा खातीर सहभागी एकामेकां कडेन संवाद सादतात. हें, शिक्षण परिवेवस्थेंतल्या सगळ्या स्तरांचेर व्हड प्रमाणांत, विकेंद्रीकृत, तंत्रगिन्यानाच्या आदारान मार्गदर्शन करपी संरचनांचो आसपाव करून साध्य जातलें.

शिक्षणांतल्या विकसीत, विकेंद्रीत फुडारपणा वरवीं शालेय शिक्षणांत सुदारणा करप हें अंतीम ध्येय आसा. देखीक, आपली गिन्यानाची बुन्याद विस्तारूंक शिक्षकांमदीं कुशळटाय वाड गतिमान करूंक, तांचीं कसबां विकसीत करून तांकां वर्गांतल्या आव्हानांक तोंड दिवपाक बरे तरेन तयार करपाक मार्गदर्शनाचो वापर करपाक जाय, जाका लागून खंयच्याय विद्यार्थ्यांच्या गटाक मेळपी दिसपट्टें शिक्षण सुदारत; शाळांतल्यान व्हड शिक्षण संस्था घडपाचो हो एक वेगवान आनी प्रभावी मार्ग थारूं येता. ही मोहीम, राज्य वा जिल्लो स्तराचेर संबंदीत भागींक/संस्थांक मार्गदर्शनाक चालना दिवपांत भुमिका करूंक दिवन क्षमताय वृद्धीच्या अदीक विकेंद्रीत दृश्टीकोनाक वाव दिवपाची एक संद आसा. हे दिकेन मुखार वतना, शालेय फुडाऱ्यांक आनी शिक्षणीक प्रशासकांकय मार्गदर्शन दिवपा खातीर मोहिमेचो विस्तार करूं येता. हीं ध्येयां साध्य करप हो एक अखंड प्रवास आसलो तरी मिशनांत कांय ठोस टप्पे आसात जे ताची प्रगती दाखयतले.




आकृती 3.4: मोहिमेचे मुखेल टप्पे

### टप्पो 1: तयारी

प्रणालींतल्या भागींनी वेवसायीक विकासा खातीर *आवश्यकतांची मोलावणी* करूं येता आनी त्यो गरजो भागोवंक एक मार्गदर्शन कार्यावळ चालीक लावपाक फावो त्या संसाधनां खातीर लॅंडस्केपाचो नकासो तयार करूं येता. ह्या वेळार, प्रणालींतल्या सहभागींक ह्या ब्लूबुक सारकिल्ल्या संसाधनांचो उपेग, व्हड प्रमाणांतले मार्गदर्शन पद्दतीचे अमंलबजावणेचे नदरेन आपले तयारेपासत करूंक मेळत.

## टप्पो 2: क्षमताय निर्माण करप

मार्गदर्शकांची भरती जातकच, ह्या टप्प्यार आवश्यक मार्गदर्शन कसबां आनी तंत्रां वाडयतनाच, तांच्या क्षेत्रा कडेन संबंदीत कसबांची क्षमताय वाडोवंक मेळटा.

## टप्पो 3: परिचय

ह्या टप्प्यांत मार्गदर्शक, तांणी 2ऱ्या टप्प्याचेर शिकून घेतिल्ल्या कसबांचो सराव नियंत्रीत वातावरणांत करूंक शकतात. तशेंच दुसऱ्या टप्प्याचेर क्षमताय निर्माण करूंक वापरिल्ली कार्यपद्दत, मार्गदर्शन संवादाच्या वेळार दिल्ल्या दर्जाचेर आनी मोलाचेर मार्गदर्शक आनी शिश्य हांच्या आयिल्ल्या प्रतिसादाचेर आदारून सुदारपा खातीर लेगीत परिचयाचो टप्पो वापरूंक शकतात.

## टप्पो 4: सशक्त करप

सहभागी आत्मविस्वासान नियंत्रीत वातावरणांनी मार्गदर्शन संरचना चालीक लावेक लागले म्हणटकच मार्गदर्शक आपल्या तज्ञतायेच्या मळार मार्गदर्शनाचो अणभव मेळोवंक लागतात. ह्या टप्प्यार चालू आशिल्ल्या क्षमताय-निर्माण सत्रांतल्यान मार्गदर्शकांची सतत उदरगत जावंक पावता. ह्या वेळार, मार्गदर्शन नातेंसंबंदाच्या अंतीम परिणामांचे नदरेन माग काडपी मापकांवरवीं मार्गदर्शन संरचनेची परिणामकारकताय समजून घेवपाक आनी नेमून दिल्ले परिणाम साध्य करूंक तिची फेरजुळवणी करपाक मजत जातली.

मार्गदर्शन कार्यावळी खातीर आशिल्ल्या उद्दिश्टां कडेन परिणाम जुळूंक जाय. देखीक, शिक्षकांच्या समवयस्कांच्या मार्गदर्शन मंडळां वरवीं मुळावी साक्षरताय आनी गणिती क्षमताय हांच्या मुल्यांकनांत विद्यार्थ्यांच्यो अध्ययन उपलब्धी वाडोवपाचे कार्यावळींत मुल्यमापन करपाचो एक परिणाम, विद्यार्थ्यांचे त्या क्षमतायांचे कामगिरेंतले टक्केवारेंतली (%) वाड हें आसा.

## टप्पो 5: वाड आनी तिगावक्षमताय

हो टप्पो मार्गदर्शन संरचनेची चांचणी करपा कडल्यान मार्गदर्शनांतल्यान सराव करपी समुदाय घडोवपा कडेन लक्ष वळयता. वेवस्थेंतल्या सगळ्या संबंदीत भागीदारांनी वांटेकार जावंक आनी तातूंत तांची आवड चालू उरतली हाची खात्री करूंक मार्गदर्शन संरचना आतां व्हडली करूं येता. सकयल दिल्ल्या गजालीं पासत यंत्रणा निर्माण करून हें साध्य करूं येताः

अ. मोलादीक प्रस्ताव दाखोवन सहभागाची गरज निर्माण करप,

आ. जण एकल्याचो सहभाग करून घेवपा पासत संस्थात्मकीकरण करप आनी

इ. संबद्ध प्रोत्साहनांवरवीं सहभागींक संरचनेंत सतत सहभागी जावंक प्रेरीत करप.

हे मोहिमेचो वयर उल्लेखीत तरेन टप्प्या-टप्प्यान प्रसार करपा खातीर, मार्गदर्शन प्रणालींतल्या सगळ्या सहभागीं मदल्या संवादांचें मोल प्रभावीपणान वाडोवपा खातीर मुखार येवपी विभाग कांय बांदण्यांच्यो देखी दितात.

# पाठ IV मार्गदर्शना खातीर उपाय



# पाठ - IV: मार्गदर्शना खातीर उपाय

## 4.1 मार्गदर्शक निवड

खंयचेय मार्गदर्शन बांदणेक, संरचनांची सुविधा दिवंक आनी प्रक्रिया चड काळ तिगोवन दवरपा खातीर प्रशासक (व्यक्ती वा गट) सोडल्यार नेमून दिल्ले मार्गदर्शक आनी शिश्यांची गरज आसता. ह्या विभागांत, मार्गदर्शकाची निवड प्रक्रिया कशी आसूंक शकता आनी खंयचीय मार्गदर्शन बांदणी येशस्वी करूंक मार्गदर्शक आनी शिश्यांचे गुणधर्म हांचेर विचार आसात.

### 4.1.1 मार्गदर्शक निवड प्रक्रिया

खंयच्याय मार्गदर्शन नातें संबंदांत, त्या मार्गदर्शकाचेर ते संरचनेंत वांटेकार आशिल्ल्या हेर भागधारकांचो विस्वास आसूंक जाय. मार्गदर्शक निवडपा खातीर आपणायिल्ले प्रक्रियेची मार्गदर्शकाचेर विस्वास विकसीत करपांत आनी पर्यायान मार्गदर्शन संवादाचो लाब घेवपाचे पद्दतींत म्हत्वाची भुमिका आसता. मार्गदर्शक निवड प्रक्रियेंत ह्या बाबींक वाव जायः

अ. समवयस्कां वरवीं नामांकन आनी /वा संभाव्य उमेदवारां कडल्यान मागणी येवप

आ. मार्गदर्शक निवड निकशां वरवीं त्या उमेदवाराच्या अर्जाचें मुंल्यांकन

इ. मार्गदर्शकांक दिका दिवप आनी तांची क्षमताय वाडोवप

योग्य मार्गदर्शक निवड प्रक्रिया रचूंक मजत करपा खातीर वेगवेगळया मळांवयले/विद्यापिठांतले समाजशास्त्रज्ञ, मानसशास्त्रज्ञ आनी शिक्षणतज्ञ हांकांय मंडळांत घेवं येत. हातूंतल्यान ते प्रणालेच्या गरजांचेर आदारून निवड प्रक्रिया विशिश्ट संदर्भांतली करूंकूय मजत जावं येत.

सगल्या इच्छीत उमेदवारांक मार्गदर्शन निवड प्रक्रियेंत प्रवेस मेळूंक जाय. देखीक, अशे संभाव्य उमेदवार आसूंक शकतात जांकां तंत्रगिन्यानाची संवकळ नासूं येता वा तांकां ती सोय नासत. तशेंच, जरीय हेर क्षेत्रांतल्यान, देखीक अखील भारतीय/राज्य सेवा अधिकारी हांचेमदल्यान मार्गदर्शकांची, निवड करपाची ते मार्गदर्शन संरचनेची इत्सा आसल्यार, तांकां अर्ज करपा पासत ती निवड प्रक्रिया दिसपाक जाय. संभाव्य उमेदवारांक अर्ज करपाक ती मार्गदर्शक निवड प्रक्रिया आडखळ थारूंक जायना.

## 4.2 मार्गदर्शकांचे गूण

खंयच्याय मार्गदर्शन नातेंसंबंदा पयलीं आनी ताच्या काळांत, ताचो चडांत चड लाव मेळोवपा खातीर मार्गदर्शक आनी मार्गदर्शन घेवपी हांचेभितर कांय गूणधर्म आसप, ते खातीर तयारी करप आनी ते शिकप गरजेचें आसा. मार्गदर्शकाक अशे आकांक्षी गूण आसपाक जाय, जाका लागून कार्यावळीच्यो इत्सीत अध्ययन निश्पत्ती मेळूंक पावल्यात. मार्गदर्शन नातेंसंबंदातली खंयचीय भुमिका घेवंक शकपा पासत कांय गूणधर्म गरजेचे अशे मानूं येता, जाल्यार मार्गदर्शक प्रशिक्षण आनी सतत क्षमताय वाडोवपाच्या कार्यावळींतल्यान वतां वतां कांय गूणधर्म विकसीत करूं येतात.

ते मार्गदर्शन वेवस्थेचे परिस्थितीच्या आदाराचेर, हांगा त्या गूणधर्मांची एक वळेरी दिल्ली आसा जी मार्गदर्शक निवडी खातीर मार्गदर्शक प्रशिक्षणा खातीर एक आरंभ बिंदू म्हूण  आनी मुखार वचून, संदर्भाच्या रुपांत काम करूंक शकता.

**अ. विविधताये विशीं जागृतायः** ह्या संदर्भांत, विविधतायेची जाणीव आसप म्हणल्यार मार्गदर्शन कार्यावळीच्या विशिश्ट वातावरणांत वेगवेगळे लोक, गट आनी मतां हांच्या अस्तित्वाची जाणीव आसप. तातूंत विंगड विंगड मार्गदर्शक आनी शिश्यांच्या समाजीक-अर्थीक फाटभूंय, लिंग, पिराय, संस्कृताय, जात, धर्म आनी हेर पैलूंची जाणीव आनी ह्या सगळयांक धरून वैयक्तीक फरकांचो आसपाव जाता.

**आ. प्रभावी संवाद सादपः** प्रभावी संवाद हो मार्गदर्शकाचो म्हत्वाचो गूणधर्म. तातूंत कल्पना, संकल्पना, ज्ञान, विचार आनी भावना संक्षिप्त आनी खात्रीशीर पद्दतीन पावोवपाची तांक आसपावता. तशेंच सक्रीय आयकप, समजून घेवप आनी हेरांक प्रतिसाद दिवप हें मार्गदर्शकां खातीर तितलेंच म्हत्वाचें आसता. ताका लागून, कार्यावळ येशस्वी रितीन चालीक लावपा खातीर प्रभावी संवाद सादप गरजेचें आसता.

**इ. सहवेदनाः** मार्गदर्शकांनी आपल्या शिश्यां विशीं सहवेदना दाखोवंक जाय, तांचे दृश्टीकोन, भावना, विचार आनी अणभव समजून घेवपाक जाय आनी ताचे कडेन संबंद दवरपाक जाय. हाका लागून योग्य मार्गदर्शन आनी आदार दिवप मार्गदर्शकांक शक्य जाता.

**ई. अणभवः** कार्यावळींच्या हस्तक्षेपांत मार्गदर्शक आनी शिश्य ह्यो दोनूय म्हत्वाच्यो व्यक्ती आशिल्ल्यान हे परिस्थितींत अणभव म्हत्वाचो आसता. अणभव म्हणल्यार मार्गदर्शकांनी आपले वेवसायीक उदरगतीच्या पुराय काळांत एकठांय केल्लें ज्ञान, कसबां आनी योग्यताय. शिश्याच्याच कामा-विभागांतलो मार्गदर्शकाचो समृद्ध अणभव, शिश्याची परिस्थिती आनी ताका येतलीं आव्हानां समजून घेवंक आनी उत्कृश्ट पद्दतींच्यो देखी आयकून घेवंक आनी ताका समजावंक, गरजेचो आसता.

**उ. तज्ञतायः** जे व्यक्तीक, एका विशिश्ट विशयांत, वेवसायांत वा क्षेत्रांत गिन्यानाचो पांवडो, कुशळटाय वा प्राविण्य उंचेलें आसता ताचे पासत तज्ञताय हें उतर वापरतात. शिश्याची  आपल्या क्षेत्राची खोलायेन समज वाडोवंक, मार्गदर्शक त्या संबंदीत क्षेत्रांत वा कार्यक्षेत्रांत तज्ञ आसूंक जाय तशेंच बारीकसाणी आनी उत्तम पद्दती दिवंक शकूंक जाय.

**ऊ. लवचिकतायः** मार्गदर्शनाचे पद्दतींत लवचिकताय आसप हो मार्गदर्शकाचो एक खाशेलो गूणधर्म. मार्गदर्शन कार्यावळी वेळार, शिश्यांच्या गरजां प्रमाणें मार्गदर्शकांक आशय आनी पद्दत जुळोवन घेवंक आनी फेरफार करूंक शक्य जावंक जाय. सगळया शिश्यांक आशय सोंपेंपणान पावचो म्हूण तिका/ताका पेरमांडणेच्यो जायत्यो पद्दती वापरपाची क्षमताय आसूंक जाय. मार्गदर्शनाचे कार्यावळींत प्रक्रिया आनी पद्दत ह्या दोनींतलेय लवचिकतायेची एक म्हत्वाची भुमिका आसता.

**ए. प्रेरणादायकः** येशस्वी मार्गदर्शका कडेन प्रेरक गूण आसूंक जाय. जे मार्गदर्शक आपल्या शिश्यांक प्रेरणा दितात, ते तांची आवड, उमेद आनी प्रेरणा प्रज्वलीत करून, तांचे सगळयांत उंचेले तांकीमेरेन पावंक मजत करता. एक प्रेरणादायक मार्गदर्शक शिश्यांक व्हडपण मेळोवपा खातीर प्रयत्न करूंक प्रेरीत करता आनी कामगिरेच्यो उंचेल्यो अपेक्षा दवरता. व्हड गजाली मेळोवप शक्य आसता हें आपल्या स्वताच्या कृतींच्या आनी जैतांच्या माध्यमांतल्यान दाखोवन दिवन, ते आपल्या शिश्यांक तांचे निवांततायेंतल्यान भायर सरून  उद्दिश्टांची फाट धरूंक प्रेरीत करतात.

**ऐ. फुडारपण कसबाः** हेरांक एका समान ध्येया वा उद्दिश्टा दिकेन फुडें सरूंक, प्रभावीत करूंक आनी प्रेरणा दिवपा खातीर, मार्गदर्शकां कडेन फुडारपणाचे गूण आनी वागणूक आसूंक जाय. आपल्या शिश्यांक प्रोत्साहीत करूंक आनी मार्गदर्शन दिवन मार्गदर्शन नातें संबंद प्रभावीत करपा खातीर मार्गदर्शकांक फुडारपण कसबां चड म्हत्वाचीं आसतात.

**ओ. विश्लेशक विचारशक्तः** मार्गदर्शकां खातीर, तर्कशास्त्र आनी कारणांच्या आदाराचेर, कल्पनांचें,, विचारांचें, परिस्थितींचें आदींचें विश्लेशण आनी मूल्यमापन करप हें म्हत्वाचें आसता. मार्गदर्शकांनी सदांच समस्या तार्कीक रितीन सोडोवच्यो आनी पुरावो सोदनासतना तथ्य वा म्हायती मान्य करचे परस वेगवेगळया नदरांनी विचार करचो. शिश्यांक आव्हानां आनी आडमेळीं हाताळपाक, तांच्या पद्दतींचें मुल्यांकन करूंक, परिस्थितीप्रमाणें जुळोवन घेवन योग्य प्रतिसाद दिवंक आदार दिवपांत मार्गदर्शकाक विश्लेशक विचारशक्त सक्षम करता.

**औ. सृजनशिलतायः** शिश्यांक आव्हानांचेर मात करपाक सक्षम करूंक सृजनशिलताय मार्गदर्शकांक नव्यो कल्पना तयार करूंक आनी अभिनव उपाय तयार करपाची शक्त दिता. तशेंच मार्गदर्शकांनी शिश्यांक वेगवेगळे दृश्टीकोन सोदून काडपाक आनी नवे विचार, संकल्पना आनी दृश्टीकोन वापरून नवे उपाय सोदून काडपाक प्रोत्साहन दिवप तितलेंच म्हत्वाचें.

**अं.चिंतनः** चिंतनात्मक कसबांतल्यान मार्गदर्शक स्वताचेर चिंतन करपा खातीर आपल्या विचारांचेर आनी कल्पनांचेर प्रक्रिया करपाक सक्षम जाता, मार्गदर्शन सत्रांचें मुल्यांकन करपाक, शिश्यां कडल्यान प्रतिक्रिया मेकळेपणान स्विकारपाक आनी मार्गदर्शक म्हूण सतत वाडपाक सक्षम जातात. मार्गदर्शकांक तांची रणनिती सुदारपाक, शिश्यांच्या गरजां विशीं तांची समज सखोल करपाक आनी अर्थपूर्ण मार्गदर्शन आनी आदार दिवपाक चिंतन मजत करता. तशेंच मार्गदर्शकांनी शिश्यांक चिंतनात्मक कसबां विकसीत करूंक आनी केळोवंक प्रोत्साहन दिवप म्हत्वाचें.

वयर उल्लेखीत गूणधर्मां खेरीज, मार्गदर्शकाक आपल्या शिश्यांचीं आव्हानां समजून घेवपाक आनी तांकां फावो तो आदार दिवपाक उच्च भावनीक निर्देशांक आसूंक जाय. मार्गदर्शक व्यक्तिमत्वाच्यो कांय देखी सकयल दिल्ल्यो आसातः

## मार्गदर्शक व्यक्तिमत्व 1

सुश्री. अस्मिता पंत ही केंद्रीय विद्यालयांत प्राचार्य आसा. ती फाटल्या 20 वर्सां सावन दोन स्कुलांची प्रमुख म्हूण वावुरता आनी 10 वर्सां पयलीं केंद्रीय विद्यालयांत प्राचार्य म्हूण रुजू जाली. एक शिक्षिका म्हूण, काळा प्रमाणें तांणी शिक्षणशास्त्रांत तज्ञताय विकसीत केली आनी आपलें ज्ञान आनी अणभव पुराय स्कुलाचे सुदारणे पासत वापरपाची इत्सा दाखयली. फुडारपणाचे कांय मॉड्युल्स पुराय करून आनी पंगड आनी संस्था वेवस्थापनाची समज वाडोवन तिणें सुरवात केली. तिणें आपल्या स्कुलाच्या शिक्षकांचें आनी कर्मचाऱ्यांचें म्हणणें आयकून घेतलें आनी सुदारणा गरजेची आशिल्लीं क्षेत्रां थारायलीं. आव्हानात्मक क्षेत्रां विशीं शिक्षकां आनी कर्मचाऱ्यां कडेन उलयतना, प्रत्येका कडेन उदरगतीचें वेगवेगळें सामर्थ्य आनी क्षेत्रां आसात हें वळखून ती मेकळया मनान सगळयांचें आयकताली. अभिप्राय दिता आसतना, ती रचनात्मक टिका करपाचेर लक्ष केंद्रीत करून, बळस्थानां आनी उदरगतीचीं क्षेत्रां अशा दोनांय खातीर पारखणी करप आनी पुरावे दिवप न चुकतां करताली. ती आपल्या कृतींचेर आनी तांच्या परिणामांचेर वारंवार चिंतन करताली आनी त्या चिंतनाचो वापर ती आपल्या कृतींनी बदल करूंक आनी आपल्या वावरांत अकार्यक्षमताय आनी नकारात्मक वाड निर्माण करपी प्रतिमानां मोडूंक वापरताली. सदांच चड शिकपाची इत्सा दवरतना, ती आपल्या स्कुलांतल्या हेरांक, स्कुलाच्या कर्मचाऱ्यां खातीर कसबां वाडोवंक कार्यशाळा घेवन, शिकत रावल्यार कशे तरेन सुदारणा जावंक शकतात हाचीं उदारणां दाखोवन, शिकप चालू दवरूंक प्रेरीत करताली. शिक्षक सुरक्षीत आनी समाधानी आसात आनी गरज पडटा तेन्ना तांकां मजत मेळटाली हाची खात्री करूंक ती खाशेले प्रयत्न करताली. तिचे वक्तृत्वांतले कुशळटायेक लागून तिचें म्हणणें जण एकलो समजून घेवंक सोदतालो आनी ती तांकां कृती करूंक प्रेरीत करताली. आतां शाळामुखेली म्हूण, शाळा सुदारणा प्रकल्पांनी फुडारपणांत जायत्या वर्सांच्या अणभवान, देशभरांतल्या शाळामुखेल्यांच्या तरांतरांच्या परिस्थितींतल्यान नवें नवें शिकत तांकां मार्गदर्शनदिवची तिची इत्सा आसा आनी तेवरवीं बऱ्या शाळांचे दिकेन ह्या शाळामुखेल्यांच्या प्रवासांत ती भागिदारी करूंक सोदता.

## मार्गदर्शक व्यक्तिमत्व 2

श्री. अमरपाल बालेंग हे सीबीएॅसई संलग्न शाळेंत भुगोलाचे शिक्षक आसात. ते फाटल्या 20 वर्सां सावन शिकयतात आनी तांच्या स्कुलांतल्या हेर शिक्षकां खातीर सतत प्रेरणा स्रोत जावन आसात. एक शिक्षक म्हूण तांचे कुशळटाये अतिरिक्त, ते चडशे हेर शिक्षकांचें आयकून घेतात आनी नव्या शिक्षकांक ते शाळेच्या वातावरणांत एकरूप जावंक आदार दितात. तांचे कडेन आपले शाळेंतल्या सगळया कर्मचारी सदस्यां खातीर एक सहाय्यक, सुरक्षीत अवकाश निर्माण करपाची आनी तो सांबाळपाची कला आसा तशेंच एक प्रेरणादायक फुडारी म्हूण तांकां सगळे मानतात. तांकां कामाचे सुवातेर सुरक्षितताय, वेवसायिकताय आनी काम नितिमत्ते खातीर उच्च मानकांचें म्हत्व आनी फायदे हांची समज आसा आनी ते आपल्या कृतीं वरवीं तें सिद्ध करतात. आतां तांकां आपले फिशालयेचो उपेग हेर शिक्षकांक आदार आसा अशें दिसपाक, मार्गदर्शन मेळटाशें दिसपाक आनी शाळांनी बरे भशेन एकरूप जावपाक आदार करून वेवसायीक जिवितांतत समाधानी जावपाचे दिकेन तांच्या प्रवासांत भागीदार जावपाक मजत करपाची आसा.

## 4.3 शिश्याचे गूण

मार्गदर्शक नातेंसंबंद यशस्वी जावपा खातीर, शिश्य ध्येयवादी, फुडाकार घेवपी, आव्हानां सोदपी, शिकपाक आनी जापसालदारकी स्विकारपाक उत्साह दाखोवपी आसूंक जाय. तांणी सक्रीय तरेन सहभागी जावंक जाय, म्हत्वाच्यो क्षमतायो तिगोवन दवरूंक जाय, ज्ञाना वांगडाच नव्यो क्षमतायो सोदूंक जाय, जापसालदारक्यो आपणावंक जाय आनी यश मेळोवपा खातीर तरेकवार प्रभावांविशीं स्वागतशील आसूंक जाय.[9] शिश्य व्यक्तिमत्वाच्यो कांय देखी सकयल दिल्ल्यो आसातः

### शिश्य व्यक्तिमत्व 1

श्री. सॅल्वा कुमार हे केंद्रीय विद्यालयांत शिक्षक आसात. ते 12 वर्सां सावन स्कुलाचे शिक्षक आसात. चड शिकपाची आनी आपले भुमिकेंत मुखार वचपाची तांची प्रवृत्ती आशिल्ल्यान, ताणीं शालेय शिक्षणाचेर कांय अभ्यासक्रम पुराय केले. जेमतेम दर्जासावन उत्कृश्टताये कडेन वचून सगल्या विद्यार्थ्यां खातीर एक व्हड अणभव घडोवपाची खूब तांक तांकां शाळेंत दिसता. आतां ते आपल्या शाळा सुदारणा प्रवासा खातीर मार्गदर्शकां कडल्यान मार्गदर्शन मागता आनी त्याच प्रवासांत मुखार शिकपाक उत्सूक आसात.

### शिश्य व्यक्तिमत्व 2

बाय. संगीता प्रधान ही जवाहर नवोदया विद्यालयांत इंग्लीश विशयाची शिक्षिका आसा. अध्यापनाचें वेवसायीक प्रशिक्षण जाले उपरांत शिक्षिका म्हूण तिची ही पयलीच पूर्ण वेळ नोकरी. शाळेंत शिकोवंक सुरवात करतना, आपलें प्रशिक्षणांतलें वर्गांत लागू करपाक तिका थोडो वेळ लागलो. 7वे आनी 8वे यत्तेच्या विद्यार्थ्यांमदल्या विंगड विंगड गटांच्या विद्यार्थ्यांकडेन संवाद सादपासयत वर्गांत तिका जायतीं आव्हानां आशिल्लीं. बाय. प्रधान हांणी जुळोवन घेवपपासत तितलो वेळ दिवपाचें थारायलें आनी शाळेंतल्या तशेंच आपल्या संपर्कजाळांतल्या हेर शिक्षकां मेरेन मजत पावोवपाचो निर्णय घेतलो. तिका शिकपाक आनी मार्गदर्शन घेवपाक उमेद आशिल्ली आनी आपल्या समवयस्कां कडेन जाल्ल्या संभाशणांतल्यान, वांटो घेतिल्ल्या कार्यशाळांतल्यान आनी सतत चिंतन करून वर्गांतल्या अडचणींचेर मार्गदर्शन करपाक तिका येस आयलें.

## 4.4 मार्गदर्शक विकास

येशस्वी मार्गदर्शक नात्यांसंबंद चडांत चड वाडोवंक आनी सक्षम करपा खातीर मार्गदर्शकांक साधनां आनी संदी दिवंक जाय. मार्गदर्शक विकास हो खंयचेय कार्यावळीचो दोन टप्प्यांचो एक भाग आसपाक जायः

अ. मार्गदर्शकांची निवड जातकच, मार्गदर्शन संवाद सुलभ करपाक मार्गदर्शकांक बरे तरेन सुसज्ज जावपाक मार्गदर्शक प्रशिक्षण कार्यावळ मजत करूंक शकता.

[9] National Institute of Technical Teachers Training and Research. (2020, September). Making Mentoring Relevant: NEP 2020 PERSPECTIVE.

ब. मार्गदर्शन कार्यावळ जशी जशी मुखार वता, तशी तशी सातत्यपूर्ण वेवसायीक विकास (सीपीडी) संदीच्या एका संचाक लागून मार्गदर्शकांक आदार मेळटा आनी मार्गदर्शक म्हूण वाडपाक मजत जावंक शकता.

## 4.4.1 मार्गदर्शक प्रशिक्षण कार्यावळ

मार्गदर्शकां कडेन शिस्त, संवाद, सहवेदना आनी भावनीक बुद्धिमत्ता, समस्या सोडोवपाची कुशळटाय, वेळ वेवस्थापन आनी फुडारपणाचीं कसबां अशीं जायतीं वेवसायीक कसबां आसतात. हीं वेवसायीक कसबां तांकां मार्गदर्शन कार्यावळी वेळार, आपल्या शिश्यांक आदार वा मार्गदर्शन दिवपाक सक्षम करतात. मार्गदर्शन प्रशिक्षण कार्यावळीक लागून मार्गदर्शकाक दोन क्षेत्रांनी उदरगती खातीर मजत करपाक जायः मुळाव्या मार्गदर्शन कसबांचो विकास आनी मार्गदर्शनाच्या प्रकारां कडेन अभिमुखताय.

### 4.4.1.1 मार्गदर्शनाची बुन्याद (गाभ्याचीं कसबां)

ह्या प्रशिक्षणांतल्यान आत्मसात करूंक जायत अशीं कांय कसबां हीं-

तकटो 4.1: कसबां, घटक आनी वर्णन

| कसबां | घटक | वर्णन |
|---|---|---|
| संवाद | सक्रीयपणान आयकप | मार्गदर्शन, कठीण संभाशण आनी हेरांत सक्रीय आयकुपाचें म्हत्व आनी मुखेल घटक. |
| | चिंतनशील आनी संशोधनात्मक प्रस्न विचारप | वेगवेगळ्या परिस्थितीं खातीर वेगवेगळे तरेचे प्रस्न विचारून अर्थपूर्ण संवादांक दिका दिवप |
| | अभिप्राय दिवप आनी घेवप | विधायक अभिप्राय प्रभावीपणान घेवपाक आनी दिवपा खातीर सुचोवण्यो |
| फुडारपण | परिवर्तन वेवस्थापन | संघटनात्मक बदल आनी ते विशीं संवाद सादून लोकांक सकारात्मक फुडारपण आनी प्रेरणा दिवपाचे मार्ग |
| | दृश्टीकोन आनी ध्येय थारावप | मार्गदर्शन नातेंसंबंदा खातीर अर्थपूर्ण नदर आनी SMART (स्मार्ट) ध्येयां थारावप |
| | जापसालदारकी निर्माण करप | पंगडांनी येशस्वीपणान जापसालदारकी निर्माण करप आनी प्रतिनिधित्व, देखरेख आनी अभिप्राय हांतूंत कसबां दाखोवप. |
| | विकासाची मानसिकताय विकसीत करप | विकास मानसिकतायेची गरज स्पश्ट करप तशेंच स्वताची आनी आपल्या शिश्यांची विकासाची |

| | | |
|---|---|---|
| | | मानसिकताय वाडोवपा खातीर संयोगात्मक रणनिती तयार करप |
| | वेळ वेवस्थापन | वेळ आनी कामा हांचे वेवस्थापन आनी अग्रमानीकरणा खातीर सुचोवण्यो |
| | संस्कृताय निर्माण करप | उत्तम पंगड/शिश्य-गट संस्कृताय घडोवपा खातीर मार्ग वळखप आनी चालीक लावप |
| **उद्भवपी हेर कसबां** | नॅटवर्कींग | हेतूपूर्ण समस्या सोडोवपा खातीर एक मुखेल सक्षमक म्हूण संपर्कजाळाचें म्हत्व समजून घेवप |
| | मार्गदर्शन आनी ताचें सार | मार्गदर्शक तयार करपाचे मार्ग तशेंच मार्गदर्शन आनी ताचें म्हत्व स्पश्ट करप. |

### 4.4.1.2 मार्गदर्शनाचे प्रकार

मार्गदर्शक संवाद आभासी आनी भौतीक दोनूय पद्दतींतल्यान एकतर समकालीक वा असमकालीक तरेन करूं येता. मार्गदर्शन सकयल दिल्ल्या प्रकारांनी विभाजीत करूं येताः

जेन्ना आपआपले परिस्थितींतल्यो समस्या सोडोवंचे नदरेन शिश्यांची एजन्सी पुनर्स्थापीत करूंक परस्पर संवाद चार मुखेल कृती - शिकप, सहभाग, सुटावें करप आनी जोडप - उत्प्रेरीत करता तेन्ना मार्गदर्शक आनी शिश्यां खातीर खंयचोय मार्गदर्शकपणाचो अणभव विधायक जाता., सकयल दिल्ले देखी प्रमाणें हें तरातरांच्या मार्गदर्शना वरवीं सक्षम करूं येताः

### अ. वैयक्तीक मार्गदर्शन

वैयक्तीक मार्गदर्शन म्हणल्यार व्यक्तीगत रुपांतलें, ज्ञान वाडोवपी संभाषण, जें सहभागी आपल्या आवडीच्या विशयाचेर करूंक शकतात. मार्गदर्शक आनी शिश्य हांचे मदीं ही लक्षवेदी चर्चा आसता. शिश्याक सहभागी जावपाक, शिकपाक आनी चर्चा करपाक विस्वाशी व्यक्ती (मार्गदर्शक वा समवयस्क) कडेन संपर्क करून निवड करपाची संद मेळटा. मार्गदर्शक, शिश्याक ताणें जोडिल्लीं कसबां आनी गिन्यान बळकट करपाक आनी आव्हानांक तोंड दितना, ज्ञान आनी कुशळटाय संच कशे तरेन लागू करप हें समजून घेवपाक मजत करता. व्यक्तिगत मार्गदर्शन पद्दतींतल्यान वांटो घेवप हो शिश्या खातीर एक अभ्यासपूर्ण प्रवास जाता, कारण तो ताका ताच्या क्षमतायांचेर खर विस्वास निर्माण करतनाच वैयक्तीक तशेंच वेवसायीक नदरेन आपली वाड करूंक आदार दिता. ताची शिश्यांची वाड फुडें व्हरपाक मजत जाता. मार्गदर्शका खातीर, ते ज्या समाजाचे आसात ताका योगदान दिवपाची संद म्हूण उपेग जाता.

### आ. गट मार्गदर्शन

गट मार्गदर्शनांत, एकेच तरेच्या आव्हानांकतोंड दितल्या शिश्यांचो एक गट सहभागी जाता. शिश्य जे समवयस्क लोकां कडल्यान शिकपाक आनी संपर्कजाळ तयार करपाक सोदतात तांकां तें उपेगाक पडटा.

### i. चर्चा मंडळां (ज्ञान हस्तांतरण मार्गदर्शन)

चर्चा मंडळां वरवीं (मार्गदर्शक मंडळां), संकल्पना (धोरणां, येवजण्यो आनी हेर) आनी समाजाच्या गरजां कडेन संबंदीत उत्कृश्ट पद्दतींची सोय करूं येता. आपलें ज्ञान, अणभव आनी शिकप हांचें वांटप करून सोंपेपण हाडटल्या मार्गदर्शकांची भुमिका घेवपी तज्ञांक ह्यो सुवाती उक्त्यो आसूं येतात. मार्गदर्शक मंडळां, मार्गदर्शनाची सुंदराय कृतीन शिकपाच्या घटकां वांगडा मेळयतात. शिश्यांक सामुहीकपणान शिकपाक आनी प्रगती करपाक प्रेरणा दिवपाक ह्या मंडळांचो लाव घेवंक मेळटा. तशेंच आव्हानांक तोंड दिवपी लोकांक वा सामुहीक गिन्यान तयार करपाचो यत्न करपी लोकांक मार्गदर्शन करतना आनी ते विशिश्ट संकल्पनेंत ज्ञान, अणभव आनी कुशळटाय आशिल्ल्या मनशान मार्गदर्शन करतना एकठांय येवन सोद घेवप आनी चर्चा करप सोंपें जाता: ते जांतूंत वांटेकार जावंक सोदतात तीं मार्गदर्शक मंडळां वेंचपाची संद शिश्यांक एजन्सीक कितें शिकपाक जाय आनी कोणा कडल्यान शिकपाक सोदता तें वेंचपाच्या साधनांनी भर घालता.

### ii. समवयस्क मार्गदर्शन (पियर मेंटरींग)

ह्या प्रकारांत, विशिश्ट आव्हानांतल्यान येशस्वीपणान मुखार गेल्ल्या वा कांय क्षेत्रांत फिशालकाय विकसीत केल्ल्या वेवसायिकांचो गट आपल्या समवयस्कांक चर्चा आनी मार्गदर्शन करपाची मेकळीक दिता. समवयस्क मार्गदर्शन (पीअर मेंटरींग) सत्रांत वेगवेगळया दृश्टीकोनांतल्यान ज्ञान आनी अणभव वांटून समवयस्कां मदीं सहाय्यकारी संबंद वाडोवपाची संद आसता. हांतूंत समान परिस्थिती आशिल्ल्या लोकांच्या विस्वासी संपर्कजाळांवरवीं तांच्या उत्कृश्ट पद्दतींची म्हायती शिश्यांक दिवप जाता, तेचबराबर तांच्याय ज्ञानांत तें भर घालता. समवयस्क मार्गदर्शनांत दोंयवशीं परस्परांच्या फायद्याची शिकपाची प्रक्रिया घडटा. मार्गदर्शक आनी शिश्य हे दोगूय ज्ञान आनी अणभव वांटून घेतात जाल्ल्यान दोनूय पक्षांक फायदो जाता. समवयस्क मार्गदर्शक शिश्याक मार्गदर्शन आनी आदार दिता आशिल्ल्यान, शिश्य शिकप सोंपें करपांत आदार करपी तरेकवार मार्गांनी ज्ञान समजून घेवपाक आनी लागू करपाचो यत्न करतात. तशेंच तें सगळयांत बऱ्या पद्दतींची देवघेव करूंक एक मंच कशें.

### iii. प्रकरण आदारीत चर्चा (परिस्थितीजन्य मार्गदर्शन)

ह्या प्रकारांत, उपाय सोदपाचे अपेक्षेन शिश्य, विशिश्ट एकसमान संघर्शाक तोंड दिवपी संपर्कजाळ/मार्गदर्शका कडेन पावतात. हो प्रकार सामुहीक समस्या सोडोवपा खातीरची एक व्हडली संद जाता.

### iv. अवचीत मार्गदर्शन

अवचीत मार्गदर्शन म्हणल्यार अल्पकाळी मार्गदर्शन जें थोड्याच वेळांत आनी निश्चीत काळांत जाता. सादारणपणान व्यक्तींक एका विशिश्ट प्रस्नाचेर वा विशयाचेर बेगीन मार्गदर्शन आनी आदाराची गरज आशिल्ले परिस्थितींत ताचो उपेग करतात. उण्या काळा भितर मोलादीक बारीकसाणी आनी आदार मेळोवपाचो हो एक लवचीक आनी कार्यक्षम मार्ग जावन आसा.

वयर उल्लेख केल्ले प्रकार मार्गदर्शक आनी शिश्य हांचे मदल्या संवादाक उर्बा दिवपा खातीर आसले, तरीय मार्गदर्शक संवाद चालीक लावपाचे अतिरिक्त मार्ग शक्य आसात. सकयल दिल्ल्या तकट्यांत दाखयल्ले प्रमाणें, समकाळी वा असमकाळी पद्दती वापरून, ऑनलायन आनी ऑफलायन माध्यमांच्या संयोगांतल्यान तें जावं येता:

**तकटो 4.2: मार्गदर्शनाच्यो पद्दती**

| प्रकार→<br>मीडिया↓ | समकालीन | असमकालीन |
|---|---|---|
| **ऑनलायन** | वयर वर्णन केल्ले प्रमाणें, सगले मोड ऑनलायन कॉन्फरन्सींग साधनां वापरतात<br><br>*व्हड प्रमाणांतल्या मार्गदर्शन कार्यावळीं खातीर हें सगळ्यांत उपेगी संयोजन आसूं येता, जंय वैयक्तीक सत्रां शक्य नाशिल्ल्या कारणान मार्गदर्शक आनी शिश्य वेगवेगळ्या भौतीक सुवातींनी आसूं येता.* | काम नेमून दिवपा खातीर आनी अभिप्रायाची अदला-बदल करपाक ऑनलायन साधनां, देखीक चिंतनशील स्वाध्याय, संबंदीत प्रस्नां सयत निदान-विशय अभ्यास (केस स्टडी) आनी हेर.<br><br>*स्वताचें चिंतन आनी स्वता शिकपाच्या वेळाक प्रोत्साहन दिवपाक खंयचेय ऑनलायन-समकाळी कार्यावळी वांगडा हाचो वापर करूं येता.* |
| **ऑफलायन** | वयर वर्णन केल्ले प्रमाणें सगळे मोड व्यक्तिगत सॅटिंगांत<br><br>*ल्हान प्रमाणांतल्या कार्यावळीं खातीर हें संयोजन सगळ्यांत चड उपेगी थारूंक शकता आनी फकत ऑनलायन पद्दतींत संवाद मर्यादीत ना करतां मार्गदर्शन कार्यांत वाड जातली.* | पुस्तकां, क्रियाकलाप किट, अनुभवात्मक कार्यावळी आनी हेर सारकिल्लीं ऑफलायन साधनां नेमूं येतात.<br><br>*स्वयं-अध्ययनाक उर्बा दिवपा खातीर चड व्यक्तीविशिश्ट ऑनलायन/ ऑफलायन– समकाळी मार्गदर्शन कार्यावळी वांगडाच हें संयोजन वापरूं येता.* |

### 4.4.2 मार्गदर्शकां खातीर सतत वेवसायीक विकास

मार्गदर्शक प्रशिक्षण ल्हवू ल्हवू जावपाक जाय आनी मार्गदर्शक चड मार्गदर्शन संवादांत वांटो घेता तशें तशें तें फुडें वचपाक जाय. देखीक, मार्गदर्शकांक वेगवेगळ्या कसबांची आनी तांचे चालू आशिल्ले शमताय वाडीक मजत करपी फुडल्या घटकाची वळख करून दिवपा खातीर मार्गदर्शक प्रशिक्षण वेगवेगळ्या पांवड्यांर जावं येता :

तकटो 4.3: मार्गदर्शक प्रशिक्षण पांवडो आनी कसबां

| पांवडो 1 | पांवडो 2 | पांवडो 3 |
|---|---|---|
| मार्गदर्शन आनी ताचें सार | चर्चा मंडळां | जापसालदारकी निर्माण करप |
| दृश्टीकोन आनी ध्येयां थारावप | संस्कृती निर्माण करप | संपर्कजाळ करप |
| गटांत सुलभीकरण | वैयक्तीक मार्गदर्शन | समवयस्क मार्गदर्शन |
| प्रकरण आदारीत चर्चा | चवकशी करपी प्रस्न विचारप | संक्रमण |
| समकाळी सुलभीकरण | अभिप्राय दिवप आनी घेवप | विकासमार्गी मानसिकताय |
| सक्रियपणान आयकप | | वेळ वेवस्थापन |
| असमकाळी सुलभीकरण | | |
| चवकशी करपी प्रस्न विचारप | | |

हाचे अतिरिक्त, शिश्यां कडेन जाल्ले चर्चेची मोख व्यापक करपाक आनी दृश्टीकोन वाडोवपा खातीर प्रशासक, संस्थांनी दिल्ले परस चड क्षमताय वाडोवपांत वांटो घेवपाची संद मार्गदर्शकाक मेळपाक जाय. मार्गदर्शकाक वेळावेळार सीपीडींत गुंतवपाची रचना मार्गदर्शक उदरगती खातीर गरजेची आसा आनी क्षमताय वाडोवपा खातीर तज्ञ सत्रां, वॅबिनार, ऑनलायन अभ्यासक्रम आनी हेर तरांनी पुराय करूं येता.

## 4.5 मार्गदर्शना खातीर क्षेत्रां

वयर उल्लेखीत मार्गदर्शन प्रकार वेगवेगळया क्षेत्रांचेर मार्गदर्शन करपांत वापरूं येतात. मार्गदर्शन कार्यावळीच्या उद्दिश्टांचेर आदारीत, भागधारकांच्यो गरजो आनी परिस्थिती लक्षांत घेवन, मार्गदर्शन खंयच्याय क्षेत्रांत दिवं येता. सत्रां खातीर सगळयांत प्रासंगीक मार्गदर्शन विशय सोदून काडपाक सकयल दिल्लीं क्षेत्रां (तकटो 4.4) देखी म्हूण वापरूं येतात. हीं सोदून काडिल्लीं क्षेत्रां एनईपी 2020 प्रमाणें आसात कार्यावळींत मुखार वतना, उद्भवपी हेर क्षेत्रां सोदून काडटले आनी तांचो आसपाव करतले.

तकटो 4.4: मार्गदर्शन आनी व्याख्या

| मार्गदर्शनाचीं क्षेत्रां | व्याख्या |
|---|---|
| **अध्यापनशास्त्राच्या आशयाचें ज्ञान (पीसीके) – शालेय विशयांचो/ फांट्यांचो आशय जाणून घेवप आनी समजून घेवप.** | पीसीके ही शिक्षकाचें विशय आनी अध्यापन संबंदीत ज्ञान वर्णन करूंक वापरिल्ली उत्ती. आशय ज्ञान म्हणल्यार विशिश्ट विशय/शास्त्रा कडेन संबंदीत वस्तुस्थिती, सिध्दांत, तत्वां आनी संकल्पना समजून घेवप, देखीक गणित, विज्ञान, समाजशास्त्र, कला आनी हेर. दुसरे वटेन अध्यापनशास्त्रीय गिन्यान म्हणल्यार अध्यापन - अध्ययन प्रक्रिये वेळार शिकप्याक आदार करपा खातीर शिक्षक वापरतात त्यो पद्धती आनी रणनिती |

| | |
|---|---|
| **मुळावी साक्षरताय आनी गणिती क्षमताय** | एनईपी 2020 त स्पश्ट केल्ले प्रमाणें, 2025 मेरेन मुळावे शाळेंत सार्वत्रीक बुन्यादी साक्षरताय आनी गणिती क्षमताय साध्य करपाक सगळयांत चड प्राधान्य दिलां. विद्यार्थी तिसरे यत्तेंत पावता म्हणसर ताका अर्थपूर्ण वाचन आनी बरोवप करपांत आनी गणिती क्षमतायांसंबंदांतली एक मुळावी समज विकसीत करपाक सक्षम आसूंक जाय. शाळा तशेंच तांचे वर्गकुडीं भायले जिणेच्या एकत्रिकरणांतल्यान मुळावी साक्षरताय आनी गणिती क्षमताय संपादूं येता. |
| **न्याय्य आनी समावेशी शिक्षण** | एनईपी 2020, सगळया भुरग्यांक दर्जेदार शिक्षण मेळपाक जाय हे संकल्पनेक चालना दिवपी न्याय्य आनी समावेशी शिक्षणाचेर खर भर दिता. तातूंत वंचीत गटांनी (बायलो, तृतीय पंथी गट, अनुसुचीत जाती आनी जमाती, हेर मागास वर्गीय, दिव्यांग आनी हेर वंचीत गट) वाडयल्ल्या आव्हानांचो विचार केला. सगल्या भुरग्यां खातीर समावेशी शिकपाचें वातावरण तयार करपाची खात्री हें धोरण दिता. |
| **क्षमताय आदारीत शिक्षण** | क्षमताय आदारीत शिक्षण म्हणल्यार एक दृश्टीकोन जातूंत, एक अढळ अभ्यासक्रम आनी काळ-चौकटींतल्यान चलोवंचे परस निरिक्षणीय आनी मापनीय सारकी वृत्ती, ज्ञान आनी कसबां विकसीत करपाचेर भर दिता. विद्यार्थ्यां कडेन वास्तव जिणेंत आपलें गिन्यान लागू करपाची तांक आसा हाची खात्री करप हें क्षमताय आदारीत शिक्षणाचें उद्दिश्ट आसा. |
| **कथा कथन आनी खेळण्यांचेर आदारीत अध्यापनपद्दत** | एनईपी 2020 आनी बुन्यादी पांवड्या खातीरचो राष्ट्रीय अभ्यासक्रम आराखडो, 2022 शिकपाच्या मुळाव्या पांवड्यार भुरग्यां खातीर कथा कथनाची आनी खेळण्यांचेर आदारीत अध्यापनपद्दतीची ठांसून शिफारस करता. भुरग्यांनी सुरवेच्या पांवड्यांर मेळयल्ली संकल्पनात्मक आकलनाचें खेळण्यांचेर आदारीत शिक्षणशास्त्रा वरवीं दृढीकरण करूं येता. तातूंतल्यान भुरग्यांची समाजीक-भावनीक वाड, कल्पकताय आनी सर्जनशीलताय हांकां उत्तेजन मेळटलें. |
| **अणभवात्मक शिक्षण** | एनईपी 2020, "दरेका विशयाचे प्रमाण अध्यापनपद्दती भितर, कृतींतल्यान शिकप, कलात्म आनी क्रीडात्म शिक्षण आनी कथा-कथन आदारीत अध्यापनपद्दत हांचो आसपाव करून" अणभवात्मक शिक्षण आपणावपाची सुचोवणी करता. |

| | |
|---|---|
| **भारतीय गिन्यान** | भारतीय गिन्यान आनी विचार सदांच ज्ञान, शाणेपण आनी सत्य हांचो सोद हो शिक्षणाचो एक भाग मानतात. भारतीय ज्ञान शिक्षणाचो हेत म्हणल्यार परमोच्च आत्मसाक्षात्कार आनी मुक्ती तशेंच व्यक्तींची जिणे खातीर तयारी करप. पुर्विल्ल्या भारतीय ज्ञानाचे घटक शास्त्रीय पद्दतीन हाताळूं येतीत. |
| **कृती संशोधन** | कृती संशोधन हो एक पद्दतशीर सोद-प्रकार जो वर्गांतल्या आनी शाळेंतल्या विशिश्ट प्रस्नांचेर लक्ष केंद्रीत करता. रणनितीं विशीं चड सोद घेवपा खातीर शिक्षक तें करतात आनी अध्यापन-अध्ययनाच्या वातावरणांत निर्णय घेवपाक ताचो आदार जाता. |
| **नीतिशास्त्र, नैतिकताय आनी घटनात्मक मुल्यां** | सहवेदना, दुसऱ्यां खातीरचो आदर, नितळसाण, सौजन्य, लोकशायेची भावना, भौशीक मालमत्तेचो आदर, विज्ञानीक वृत्ती, स्वातंत्र्य, जापसालदारकी, एकाधिकत्ववाद, समानताय आनी न्याय हांचेर भर दिवपी तत्वां, नैतीकताय आनी घटनात्मक मुल्यां वरवीं बरी शिक्षण वेवस्था चालीक लागता. |
| **डिजिटल शिक्षण साक्षरताय** | सगळयांक दर्जेदार शिक्षण दिवपा खातीर तंत्रगिन्यानाच्या फायद्यांचो लाव घेवपाचें म्हत्व एनईपी 2020, मान्य करता. डिजिटल प्लॅटफॉर्म आनी आयसीटी आदारीत शिक्षणीक उपक्रम गरजेचे आसात आनी फुडाराच्या शिक्षणीक परिदृश्यांतल्या आव्हानांक तोंड दिवपा खातीर तांकां समर्थन दिवपाची आनी तांचो विस्तार करपाची गरज आसा. |
| **वेवसायीक प्रदर्शन आनी कुशळटाय** | एनईपी 2020, वेवसायीक आनी शिक्षणीक शिक्षण हांचे मदीं कडक वेगळेपण ना हे संकल्पनेक उर्बा दिता. खासा करून विद्यार्थ्यांक आपले आवडी प्रमाणें विशय वेंचपाचो पर्याय आसतलो, जाका लागून फुडारांत तांकां स्वताचो मार्ग वेंचपाक मेळटलो. उमेदवारेच्या (इंटर्नशिप) शक्यतायांतल्यान विद्यार्थ्यांक सुतार, माळी, कुंभार आनी कलाकारां सयत वेगवेगळ्या मळांवयल्या वेवसायीक तज्ञांक भेटयता. |
| **कलात्म शिक्षण** | अध्यापनपद्दतींनी कलात्म शिक्षणाचो आस्पाव केल्ल्यान भुरग्यां खातीर खुशालभरीत आनी उमेदीचें अशें शिकपाचें वातावरण तयार जातलें. भारतीय कला आनी संस्कृताय हांची सामावणी शिकपांत भारतीय लोकाचार आनी मुल्यां सांबाळूंक पावतली आनी शिक्षण आनी संस्कृती हांचे मदलें नातें आनीक घटमूट जातलें, जें खंयच्याय देशांतले शिक्षण वेवस्थेचें सगळयांत म्हत्वाचें आंग आसता. |

| | |
|---|---|
| **क्रीडात्मशिक्षण** | एनईपी 2020 अशें सुचयताः "अध्यापन पद्दत क्रीडात्म जाय, जी देशी खेळां सयत शारिरीक क्रियाकलापांचो वापर करता, जी सहकार्य, आपूण जावन फुडें सरप, स्व-दिग्दर्शन, स्वयें-शिस्त, सांघीक वावर आनी जापसालदारकी अशीं कसबां विकसीत करूंक विद्यार्थ्यांक मजत करतली". |
| **समाजाचो सहभाग** | प्रभावी शिक्षणा खातीर भुरग्याचे शिक्षण प्रक्रियेंत समाजाचो सहभाग करपाक वेगवेगळ्या अभ्यासांनी आदार दिला. वेगवेगळ्या तरांनी समाजाचो अर्थपूर्ण सहभाग भुरग्यां मदीं सांस्कृतीक आदराची भावना विकसीत करतलो आनी समाजीक-भावनीक शिक्षण वाडयतले. तशेंच तांकां शाळे भायर समाजाची गतिकी शिकपाक मजत जातली. |
| **एकविसाव्या शेंकड्यांतलीं कसबां** | विकसीत जावपी समाज आनी संवसारांत व्यक्तींची भरभराट जावपाची गरज म्हूण मुखार आयिल्ल्या तरेकवार कसबां वा क्षमतांचो आसपाव हांतूंत जाता. ह्या कसबांभितर सर्जनशीलताय, अंकीय साक्षरताय, समस्या सोडोवप, दळणवळण/ संपर्क, नवसर्जन आनी अनुकूलनक्षमताय हांचो आस्पाव जाता. नव्या उद्धवपी तंत्रगिन्यानाचे प्रगतीक लागून हीं कसबां आतां व्यक्तींक संवसारीक नागरीक जावपा पासत म्हत्वाचीं थारतात. |
| **360 अंश मुल्यांकन निर्मणी आनी करप (समग्र मुल्यांकन)** | एनईपी 2020 त, भुरग्यां खातीर 360 अंश भोवआयामी मुल्यांकन सुचयलां. भुरग्यांचें मुल्यांकन शिक्षक, पालक, समवयस्क आनी स्व-मुल्यांकना वरवीं सर्वांगी पद्दतीन करपाक जाय. तें संज्ञानात्मक, भावात्मक आनी मनोप्रेरक विकासाचीं सगळीं आंगां व्यापतलें. |
| **शिक्षकांची मानसीक भलायकी** | सध्याचे शिक्षणीक परिस्थितींत शिक्षक मध्यवर्ती भुमिका करतात आनी तांच्या वेवसायाकडल्यान अपेक्षा खूब वाडिल्ली आसा. भावनीक मागणी, काम आनी जीण हांचेमदलो समतोल आनी कामगिरचो ताण हे कांय घटक शाळेंतल्या शिक्षकांचे मानसीक भलायकेचेर परिणाम करतात. ताका लागून शाळांनी शिकपाचें वातावरण समर्थनकारी आनी निरोगी करपा खातीर शिक्षकांचे मानसीक भलायकेच्या विशयाची दखल घेवप गरजेचें. |

## 4.6 मार्गदर्शन संवाद

विधायकक मार्गदर्शन संवाद ही मार्गदर्शक आनी शिश्य दोगांकूय फायद्याची अशी एक यशस्वी मार्गदर्शक नात्यां संबंदांची गुरुकिल्ली जावन आसा; मात, मार्गदर्शक आनी शिश्य हांचे मदले संबंद कालांतरान विकसीत जातात. पुराय संवादा वेळार, मार्गदर्शक आनी शिश्य हांचे मदलो नाते संबंद सुसंगत आनी विस्वासपात्र आसपाची गरज आसा आनी तांणी मार्गदर्शक संबंदांत वांटो घेवपाचें कित्याक लागून थारायलें हाचेर विचार

करपाक जाय. मार्गदर्शन कार्यावळीच्यो मोखी मार्गदर्शक आनी शिश्य ह्या दोगांयच्या संवादाचेर आदारून आसतात. ह्या संवादांत सकयल दिल्ल्या मुद्द्यांचो आस्पाव जाता:

अ. विस्वास आनी भावबंध निर्माण करप

आ. मोखी थारावपा खातीर सहयोगी यत्न

इ. मार्गदर्शक आनी शिश्य ह्या दोगांयच्यो वारंवार बसका

ई. एकामेकांची तोखणाय आनी प्रेरणा

उ. वैयक्तीक आनी वेवसायीक उदरगत

ऊ. समर्थनकारी मार्गदर्शन आनी अभिप्राय

# पाठ V मार्गदर्शन कार्यावळीचे घटक



# पाठ -V: मार्गदर्शन कार्यावळीचे घटक

मार्गदर्शन कार्यावळ ही एक किचकटीची रचना आसपाची शक्यताय आसता आनी तिचें रुपांकन करतना जायत्या घटकांचो विचार करचो पडटा. मार्गदर्शन कार्यावळ कार्यक्षमतायेन रुपांकीत करूंक आनी चालीक लावपाक सकयल दिल्ले घटक मदत करूंक शकतात:

## 5.1 कार्यावळ रुपांकन आनी नियोजन

अ. लक्ष्य गट (शिश्य)

आ. मार्गदर्शन कार्यावळीचें स्वरूप

इ. अधिकृतीकरणा खातीर संभाव्य मार्गदर्शक

ई. संबंदीत सगळ्या भागधारकां खातीर दृश्टीकोन, ध्येय आनी अपेक्षीत परिणाम (मार्गदर्शक, शिश्य, प्रशासक आनी हेर)

उ. सत्रांचो कालावधी आनी वारंवारताय

ऊ. मार्गदर्शन संवादाची पद्दत

ए. कार्यावळ संबंदीत म्हायतीचो प्रसार


ऐ. देखरेख आनी मुल्यांकन

ओ. अभिप्राय आनी फाटपुरवण

### 5.1.1 मार्गदर्शकाची प्रगती

मार्गदर्शन कार्यावळींत फकत मार्गदर्शक आनी शिश्य हांचे मदल्या संबंदांचोच आसपाव आसना, तर गळटी मतींत दवरून हे पद्दतींत मार्गदर्शक सतत उपलब्ध आसतले हें पळयतात. मार्गदर्शक पद्दत चालू दवरपा खातीर सदांच भायल्या स्रोतांचेर आदारून रावनासतना तिचे तिगावक्षमतायेक धिगी दिवपाक शकत अशे तरेन ती रुपांकीत करूंक जाय. देखीक, खासा मार्गदर्शकांनीं एका थारावीक पांवड्याचें प्रशिक्षण घेतले उपरांत नव्या मार्गदर्शकांक प्रशिक्षण दिवंक जाता. चार पांवड्याचे एके प्रक्रियेचें उदाहरण सकयल दिल्लें आसा.

मार्गदर्शन संबंदाची श्रेढी (progression) मतींत धरून मार्गदर्शन कार्यावळीची श्रेढी रुपांकीत करूंक जाय.




आकृती 5.1: मार्गदर्शक प्रगती

## 5.2 कार्यावळ वेवस्थापन

मार्गदर्शन कार्यावळीची प्रभावी अंमलबजावणी करपा खातीर, एक कार्यावळ वेवस्थापन विभाग (कावेवि/पीएमयू) वा प्रशासकांचो पंगड स्थापन करूं येता, जातूंत सकयल दिल्ल्या घटकांचो आस्पाव करूं येता:

अ. सल्लागार गट स्थापन करप

आ. कार्यावळ वेवस्थापन करपाची पद्दत

इ. उदरगतीची येवजण आनी संसाधन रुपांकन

ई. कार्यावळीचेर नदर दवरपाची यंत्रणा

उ. भागधारक, संस्था आनी कार्यावळ हांचे खातीर एक अभिप्राय-यंत्रणा

ऊ. मनीस संसाधन उदरगती खातीर रणनिती

ए. प्रभावी जनसंपर्क आनी संवाद यत्न

ऐ. कार्यावळ चालीक लावपा खातीर अर्थसंकल्पी तरतूद

## 5.3 कार्यावळ संचालन

लक्षांत दवरपाचीं संचालन कार्यां अशीं आसात:

अ. मार्गदर्शक, शिश्य, कार्यावळ कर्मचारी आनी स्वयंसेवक आसत जाल्यार – हांचो एक पंगड घडोवप

आ. संभाव्य मार्गदर्शकांची छाननी आनी शिश्यांची विधिग्राह्यताय थारावप

इ. मार्गदर्शक, शिश्य आनी कार्यावळ कर्मचाऱ्यांचें अभिमुखीकरण आनी तांकां प्रशिक्षण दिवप.

ई. मार्गदर्शक आनी शिश्यांचें मानचित्रीकरण

प्रस्थापीत मापदंडां भितर मार्गदर्शक आनी शिश्यां खातीर कार्यावळी आनी सत्रांचें नियोजन करप.

उ. मार्गदर्शन कार्यावळीचेर देखरेख दवरपा खातीर सहाय्यक यंत्रणा

ऊ. वांटेकारांच्या योगदानांची पुराय कार्यावळींत दखल घेवप

ए. मार्गदर्शक आनी शिश्य हांकांक तांचीं ध्येयां साध्य करपांत सोंपेपणां करप दिवप.

### 5.3.1 भुमिका आनी जापसालदारक्यो

मार्गदर्शन कार्यावळीच्या वेगवेगळया भागधारकांच्यो सूचक भुमिका आनी जापसालदारक्यो सकयल दिल्यातः

**तक्तो 5.1: भागधारक आनी जापसालदारक्यो**

| भागधारक | जापसालदारक्यो |
|---|---|
| **वरिश्ठ अधिकारी/ कावेवि** | अ. मार्गदर्शक प्रशिक्षणा खातीर कार्यावळी, दिशामार्ग आनी अभ्यासक्रम रुपांकीत करप<br>आ. मार्गदर्शक वेंचून काडप<br>इ. मार्गदर्शकांची तांक वाडोवप<br>ई. सतत क्षमताय वाडोवन मार्गदर्शकांक आदार दिवप<br>उ. मनोबळ ऊंच दवरपापासत, नामनेच्या वक्त्यांक मार्गदर्शनाचेर तांचे विचार नोंदोवपाक आनी मांडपाक आमंत्रण दिवप<br>ऊ. कार्यावळीचे प्रभावी अंमलबजावणेची खात्री करप<br>ए. कार्यावळीचेर नदर दवरप आनी तिचें मुल्यांकन करप |
| **मार्गदर्शक** | अ. मार्गदर्शक प्रमाणन कार्यावळ पुराय करप<br>आ. हेर शिक्षकां खातीर मार्गदर्शन संरचना घडोवप आनी तातूंत शिकोवप<br>इ. शिश्यांकडल्यान आपल्या मार्गदर्शन कसबांचेर सुचोवण्यो आनी अभिप्राय घेवप.<br>ई. सातत्यान क्षमताय वाडोवपा खातीर प्रशिक्षण/ कार्यशाळांक हाजीर रावप |
| **शिश्य** | अ. मार्गदर्शक संरचनांक उपस्थीत रावप<br>आ. निरंतर वेवसायीक उदरगती पासत शिकोवप, आदान-प्रदान, सुटावें करप आनी जोडून घेवप |

## 5.3.2 मार्गदर्शक कार्यावळीच्या वेगवेगळया टप्प्यांच्या कामकाजा खातीर शिफारशी

### अ. कार्यावळ आरंभ

i. देश/राज्य/यंत्रणेंतल्या वेवसायिकांक मार्गदर्शक जावपा खातीर निवड प्रक्रिया रुपांकीत करप

ii. मार्गदर्शक म्हूण नोंदणी करपा खातीर निकश जाहीर करप

iii. यंत्रणेच्या भागधारकां खातीर निकश आनी निवड वेळापत्रक जाहीर करप.

### आ. मार्गदर्शक निवड प्रक्रिया (परिशिश्ट II पळोवचें)

मार्गदर्शक निवड प्रक्रिया चालीक लावपाचे दोन टप्पे सकयल दिल्ले प्रमाणें आसात:

i. टप्पो 1: लोकसंख्याशास्त्रीय तपशील मागपी एक अर्जीपत्र आनी ऑनलायन शिकपाचे परिस्थितींत आव्हानां सोडोवपाचे अर्जदाराचे क्षमतायेचें मुल्यांकन करपी निदान-विशय अभ्यास. निवड जाल्ले अर्जदार दुसऱ्या टप्प्यांत वतले.

ii. टप्पो 2: संवाद कसबां, प्रेरणा दिवपाची तांक, कार्यक्षेत्राचें ज्ञान आनी हेरांचें मुल्यांकन करपा खातीर परस्पर संवाद/मुलाखत. मुलाखतीची प्रक्रिया तज्ञांची समिती करतली. वेंचून काडिल्ले अर्जदार मार्गदर्शन प्लॅटफॉर्माचेर मार्गदर्शक म्हूण अधिकृतपणान जाहीर जातले.

*एका विशिश्ट कार्यक्षेत्रांतले नामनेचे आनी उत्कृश्ट वेवसायीक एनसीटीई वरवीं थेट एनएमएम खातीर अधिकृत करतले.*

### इ. मार्गदर्शकाची क्षमताय वाडोवप

i. मार्गदर्शकां खातीर कार्यशाळा रुपांकीत करप जाचो उद्देश तांकां प्रभावीपणान मार्गदर्शन करपाक जाय आशिल्ल्यो संकल्पना, कसबां आनी तंत्रगिन्याना विशीं ज्ञान तयार करप देखीक सुलभन कुशळटाय, तपासणे प्रस्न विचारप, शिश्यांच्या गटा भितर एक संस्कृती घडोवप आनी हेर.

ii. मार्गदर्शन संवाद सुरू जावंचे पयलीं क्षेत्र तज्ञांक दिशा-दर्शन/क्षमताय निर्माण करपा खातीर आमंत्रीत करून म्हायती व्हिडियो आनी नियोजीत उपक्रम आदीं वरवीं कार्यशाळा घडोवन हाडप.

### ई. मार्गदर्शक अधिकृतीकरण प्रक्रिया

i. मार्गदर्शकांक मार्गदर्शक प्लॅटफॉर्माचेर अधिकृत करपा खातीर मार्गदर्शक तत्वां तयार करप आनी वांटप (एनएमएम पोर्टल/मोबायल ॲप्लिकेशन)

ii. मार्गदर्शक आपली आपली वळख तयार करतले आनी गरजेची म्हायती दितले.

### उ. शिश्य अधिकृतीकरण प्रक्रिया

i. शिश्यांचें मार्गदर्शन प्लॅटफॉर्माचेर अधिकृतीकरण करपा खातीर मार्गदर्शक तत्वां तयार करप आनी वांटप

ii. शिश्य-अधिकृतीकरण प्रक्रियेचो माग काडूंक नोंदी सांबाळप.

### ऊ. मार्गदर्शन संवाद

i. मार्गदर्शक, प्लॅटफॉर्माचेर गट मार्गदर्शन सत्रांचें वेळापत्रक आनी आयोजन करूंक शकतात

ii. शिश्य, प्लॅटफॉर्माचेर गट मार्गदर्शन सत्रां आनी मार्गदर्शक सोदपाक शकता आनी सत्रांनी हाजीर रावपाक नोंदणी करूंक शकता

iii. शिश्य, वैयक्तीक रितीन संबंदीत अधिकारक्षेत्राच्या मार्गदर्शकां कडेन आपले प्रस्न घेवन पावंक शकतात. मार्गदर्शक आनी शिश्य एकामेकाकडेन उलोवन मार्गदर्शन संवादा खातीर वेळ आनी आराखडो थारावंक शकतात

iv. शिश्य मार्गदर्शकाक दर्जो/ श्रेणी आनी अभिप्राय दिवंक शकता

*अधिकृतीकरण वा मार्गदर्शन संवादा कडेन संबंदीत खंयचोय तंत्रीक दोश निवारपाक आयटी पंगड आदार दितलो.*

### ए. देखरेख आनी विश्लेशण

i. प्लॅटफॉर्माचेर मार्गदर्शन कार्यावळीचो माग काडप आनी गरजे प्रमाणें म्हयन्याळो/त्रैमासीक अहवाल तयार करप

ii. मार्गदर्शन कार्यावळीचें विश्लेशण करपाक सगळ्या अहवालांचो माग काडप आनी संकलीत करप आनी गरजे प्रमाणें सक्षम करपी उपाय सुचोवप.

## 5.4 कार्यावळ मुल्यांकन


सतत दर्जो सुदारपा खातीर मार्गदर्शन कार्यावळीच्या मुल्यांकना खातीर सकयल दिल्ल्यो गजाली गरजेच्यो आसात:

अ. कार्यावळीची प्रगती मेजपाची येवजण

आ. कार्यावळीचे अपेक्षीत परिणाम मेजपाची प्रक्रिया

इ. कार्यावळीचें मुल्यांकन, निश्कर्श आनी प्रसाराचेर सर्वसमावेशक अहवाल.

कार्यावळीचें यश तीन मापकांचें मुल्यांकन करून मेजूं येता:




आकृती **5.2:** मार्गदर्शन करपा खातीर मुल्यांकन मापकां.

अ. **रिगाव/ प्रवेशः** मार्गदर्शक कार्यावळ जांच्या उपेगाची म्हूण येवजिल्ली त्या सगळया गरजेच्या भागींक सामावन घेता व्हय**?**

कार्यावळीचें मुल्यांकन करतना कार्यावळींत रिगाव/ प्रवेश मेळपाची शक्यताय ही सगळ्यांत म्हत्वाची गजाल मतींत घेवपाची आसता. खंयच्याय विभागाच्या सगळ्या वांगड्यांक मार्गदर्शन मेळपाक जाय कारण तें व्यक्तीपरक आनी सर्वसमावेशक वेवसायीक विकासांत वांटो घेवपाची संद दिता. भागधारकांच्या अस्तित्वांत आशिल्ल्या समग्र नोंदींभांडारांत (database) व्याप्ती पळोवन ह्या निर्देशकाचें मुल्यांकन करपाक जाय. तशेंच तातूंत समावेशकताय**,** विविधताय**,** मापनियताय **(**स्केलेबिलिटी**),** भास आनी प्रवेश ह्या सारक्या म्हत्वाच्या घटकांचोय आस्पाव आसपाक जाय, जे विंगडविंगड परिस्थिती आशिल्ल्या देशांत यशस्वी अंमलबजावणे खातीर गरजेचे आसात.

भागीं खातीर मार्गदर्शन ही एक तर गरजेची वा इत्सेची (ऑप्ट-इन) संद हे कार्यावळीवरवीं जावंक शकता**,** अशें आसल्यारूय " मार्गदर्शनाचो चडांत चड फायदो ज्या भागींक जातलो, ते कार्यावळीक प्रवेश घेतात व्हय**?"** हो प्रस्न विचारप म्हत्वाचें आसतलें. हेपासत मार्गदर्शक कार्यावळ फर्मावणी आनी निवड ह्या दोनींचो मेळ जावपाची गरज आसा. खंयचेय यंत्रणेंत नव्या पद्दतींचो आस्पाव करप आव्हानात्मक आसता आनी उपलब्धताय आनी प्रवेश सुनिश्चीत करपाचे उपाय गरजे प्रमाणें लागू करपाक जाय

आ. **समाधानः** हे कार्यावळीविशीं मार्गदर्शक**,** शिश्य आनी तांच्यो तांच्यो शाळा/ संस्था कितल्यो समाधानी आसात**?**

हें मापक मार्गदर्शक संवादांचे गुणवत्तेचेर भर दिता. कार्यावळ चालू उरता आनी ताची मागणी जाता हें सुनिश्चीत करूंक सगळ्या वांटेकार भागधारकांचें समाधान जावप गरजेचें. हे कार्यावळीक लागून तांच्या वेवसायीक जिवितांत कितलें मोल वाडटा हें, आनी तांच्या गुंतवणूक केल्ल्या वेळाचेर तांकां मेळपी परताव्या विशीं विचारपी नियमीत सर्वेक्षणाचो वापर करून मार्गदर्शक आनी शिश्यांचें समाधान मेजूं येता. भागधारकांचें समाधान दोन वेगळीं मापकां वापरून मेजूं येता –

i. केल्ल्या संवादाचो दर्जो - मार्गदर्शक आनी शिश्य, मार्गदर्शन संवादांचे संरचनेची खोस जोडटात आनी ह्या उपक्रमांचेर चडांत चड वेळ खर्च करपाक दोनूय वटांनी जाय तितली गुंतवणूक आसा हाची खात्री करता.

ii. संवादांतल्यान पावयल्ल्या आशयाचो दर्जो – ह्या संवादां वेळार दिल्लो आशय भागींच्या वेवसायीक जिवितांत मोल-वाड करता हाची खात्री करता. भागींक आपल्या सद्याच्या गिन्याना कडेन संबंद जोडपाक आनी आकलनाचे नदरेन फावोशें परिचीत आनी जाल्यारूय विचार नवे दिकेन व्हरपा खातीर पुरोशें आव्हानात्मक आसूंक जाय.

इ. **प्रभावः** कार्यावळीचो शाळे/ संस्थेचेर कितें प्रभाव पडटा**?**

हें मापक प्रभावा खातीर मार्गदर्शन पद्दतीचें मुल्यांकन करता आनी घडये तोलूंक सगळ्यांत कठीण जाता. मार्गदर्शक कार्यावळीच्या उद्देशाचेर आदारून, विद्यार्थ्यांचेर जाल्लो परिणाम, शालेय संस्कृतायेंत बदल आनी हेरांचें मुल्यांकन करचें पडूं येता. मेजपा खातीर हें दीर्घकाळी मापक आसलें आनी कार्यावळीच्या सुरवातीच्या पांवड्यार तें चलपायोग्य नासल्यारूय, दिसपट्ट्या पद्दतींचेर जावपी परिणामाचेर अभिप्रायाक धरून कार्यावळींत, उद्दिश्टां साध्य करतना ती रुळार उरचे नदरेन बदल करपाक मदत करूंक शकता.

दीर्घ काळांत कार्यावळीचें येस आनी ती चालू दवरपाचे निर्णय हे कार्यावळीक लागून निर्माण जाल्ल्या परिणामाचेर आदारीत आसपाक जाय. मार्गदर्शन कार्यावळींत विशिश्ट काळ घालयल्या उपरांतूच हें मेजपाक मेळटा, जाल्यारूय कार्यावळीच्या यशाचें हें सगळ्यांत म्हत्वाचें सूचक आसात. शाळेंत सुदारणा, नवे कार्य संस्कृती खातीर परिवर्तन तत्परताय, सुदारिल्ल्यो अध्ययन निश्पत्ती आनी हेर परिणाम मेजपा खातीर योग्य यश सूचकांचो वापर करपाची आवश्यकताय आसा आनी कार्यावळींत वारंवार बदल करप गरजेचे आसा. हाचीं कांय उदाहरणां अशीं आसात:

**तकटो 5.2: उद्दिश्ट आनी प्रभाव सूचक**

| मार्गदर्शन कार्यावळीचो उद्देश | वापरूं येता अशे प्रभाव सूचक |
|---|---|
| सेवा-पूर्व शिक्षकांचें कर्मचारी वर्गांत संक्रमण सोंपें करपा खातीर सेवा-पूर्व शिक्षकांक सेवेंत आशिल्ल्या शिक्षकांचें मार्गदर्शन मेळटलें. | अ) कर्मचारी वर्गांत सामील जातकच शिक्षकांच्या समाधानांत टक्केवारी वाड<br>आ) नव्या शिक्षकांच्या विद्यार्थ्यांच्या अध्ययन निश्पतींचे टक्केवारेंत वाड |

| | |
|---|---|
| | इ) नव्या शिक्षकांच्या विद्यार्थ्यांच्या समाधानाच्या पांवड्याचे टक्केवारींत वाड<br>ई) सेवेंत आशिल्ल्या शिक्षक-मार्गदर्शकां खातीर कामगिरी निर्देशकांत टक्केवारींत वाड |
| बुन्यादी साक्षरताय आनी गणिती क्षमताय हांतूंत, विद्यार्थी शिकपाचे परिणाम वाडोवपा खातीर, चोंब्यांतलेले शिक्षक समवयस्क मार्गदर्शन मंडळ तयार करतात | अ) बुन्यादी साक्षरताय आनी गणिती क्षमताय मुल्यांकनांत विद्यार्थ्यांचे कामगिरी टक्केवारेंत वाड<br>आ) वर्गाच्या निरिक्षणां वेळार नोंद केल्ल्या योग्य अध्यापन-अध्ययन साहित्याच्या वापरांत आनी कामगिरी टक्केवारेंत वाड<br>इ) शिक्षकांचे समाधान-टक्केवारेंत वाड आनी समाजाची समुदाय भावना जागप |

एनएमएम, एसडीजी 4 (दर्जेदार शिक्षण) वरवीं प्रेरीत आसली तरी एसडीजी अंमलबजावणेच्या वेळापत्रका पुरती मर्यादीत ना. यंत्रणे भितर मार्गदर्शन करपा खातीर चालू आनी सातत्यान मार्गदर्शन प्रक्रिया तयार करपाच्या हेतान ही मोहीम सुरू करतले. वयर दिल्ले परिणाम निर्देशक, मार्गदर्शन कार्यावळीच्या उद्दिश्टां आनी इच्छीत ध्येयांनी वेळार फेरबदल करपाक उपेगी थारतले.

बदल घडोवन हाडपा खातीर सकारात्मक मजबुतीकरणाचो वापर करपाच्या यत्नांत, सकारात्मक परिणाम घडोवन हाडपी सगळ्या भागधारकांच्या कामाक इनाम दिवपाक जाय आनी प्रोत्साहन दिवपाक जाय. हाका लागून हेर फायद्यां वांगडाच मार्गदर्शन कार्यावळींतल्यान येवपी बदल आनी सकारात्मक परिणामाचेर सातत्यान लक्ष केंद्रीत जातलें. निमाणें, मार्गदर्शन कार्यावळीचें मुल्यांकन भारतांत शिक्षणांत सकारात्मक बदल घडोवन हाडपाचे तिचे क्षमतेवरवीं करपाक जाय.

## 5.5 संस्थात्मकीकरण

संस्थात्मक, संघटनात्मक आनी वैयक्तीक वेवसायीक ध्येयां साध्य करपा खातीर मार्गदर्शन हो एक बरो मार्ग. वेवस्थेची सामुहीक मोल दिवपाची तजवीज सुदारपा खातीर तें परिवेवस्थेंत अस्तित्वांत आशिल्ल्या संसाधनांचो लाव घेता आनी शिक्षण वेवस्थेच्या सगळ्या पांवड्यांर एक गरजेची कार्यावळ म्हूण ताचेकडेन पळोवंक जाय. हो गरजेचो उपक्रम ही एक चलती प्रक्रिया आसूंक फाव जी सगल्या भागधारकां खातीर तगावक्षम रितीन दिसपट्ट्या पद्धतींनी तिगून उरता.

मार्गदर्शक कार्यावळीक लागून लाबार्थ्यां मदीं इश्टागतीची भावना आशिल्ल्यान सुरवेक जाळवणदारां मदीं खूब समाधान दिसूं येता पूण, मार्गदर्शक, शिश्य आनी प्रशासन हांकां मार्गदर्शन कार्यावळ चालीक लावपाक खूब वेळ आनी यत्न लागतात. अशे तरेची कार्यावळ चालू दवरपा खातीर मार्गदर्शन कार्यावळीचें संस्थात्मकीकरण करपाची गरज पडटली.

संस्थात्मकीकरण म्हळयार, खंयचेय संस्थेंत वा संस्कृतायेंत कितें तरी परंपरा वा नेम म्हूण प्रस्थापीत करपाची कृती. मार्गदर्शन व्हडा प्रमाणार तिगून उरपाक कार्यावळींतल्यो सगळयो संरचना संस्थात्मक पद्दती आनी लाव हांकां जोडूंक जाय. खंयच्याय पांवड्यार मार्गदर्शन येसस्वीपणान संस्थात्मक करपाचे दोन मार्ग आसात.

## 5.6 प्रोत्साहन दिवप

हे कार्यावळींत वांटो घेवपा खातीर मार्गदर्शक, शिश्य आनी तांच्या संबंदीत संस्थांची शिक्षण वेवस्थेंत अस्तित्वांत आशिल्ल्या संरचनांनी भरभराट जायत अशे तरेन बिगर अर्थीक प्रोत्साहन दितात.

मार्गदर्शक वा शिश्य हाका प्रोत्साहन दिवपाक कशें मेळटलें हाचीं कांय उदाहरणां अशीं आसात:

### तकटो 5.3: प्रोत्साहनाचे प्रकार

| उदाहरण क्र. | प्रोत्साहनाचे प्रकार | तपशील |
|---|---|---|
| उदाहरण - 1 | मार्गदर्शकां खातीर प्रकटन वा संद दिवप | अ) उत्कृश्ट कामगिरी करपी मार्गदर्शकांक नांवाजते संस्थे कडल्यान खाशेल्या फुडारपण विकास अभ्यासक्रमांत प्रवेशाची संद.<br>ब) एनएमएम शिक्षकां खातीरच्या राष्ट्रीय वेवसायीक मानकां (एनपीएसटी) कडेन जोडटले |
| उदाहरण - 2 | उत्कृश्ट कामगिरी करपी मार्गदर्शकांची दखल घेवप | अ) तोखणायेचीं प्रमाणपत्रां<br>ब) उजवाडांत हाडप, देखीक संकेतथळार दिसप, उत्कृश्ट कामगिरी करपी मार्गदर्शकांच्या कथांचेर उजवाड घालप आनी हेर.<br>क) एनएमएमा वयल्या वर्साअखेरेच्या परिसंवादांत उत्कृश्ट पद्दती दाखोवपाची संद |

शिश्यांचे उत्कृश्ट कामगिरेची दखल घेतले आनी तोखणायेचें प्रमाणपत्र दितले.

## 5.7. मार्गदर्शन कार्यावळींक आव्हानां

मार्गदर्शन कार्यावळ आडमेळयां पसून मुक्त ना. मार्गदर्शन कार्यावळीचें रुपांकन आनी अंमलबजावणी करपांत खाशेलीं आव्हानां आसूं येतात. मात, ह्या आव्हानांची आमकां जाणविकाय आसल्यार तांचेर साद्या पद्दतींनी उपाय काडूं येता.

### 5.7.1 बेजोड अपेक्षा

खंयचेय मार्गदर्शन बांदणेंत एक गरजेचो घटक म्हळयार सहभागी आशिल्ल्या सगळया भागधारकां खातीर ध्येयां थारावप आनी स्पश्ट अपेक्षा. ध्येयां थारावप आनी अपेक्षा जुळोवप हें, खासा करून जेन्ना मार्गदर्शक वा शिश्य हांकां मार्गदर्शना भितर कितें साध्य करपाक सोदतात हाचे विशीं स्पश्टताय नासल्यार, एक आव्हान जावंक शकता.

हे आडमेळें पुरायपणान टाळपा खातीर, पुराय मार्गदर्शन कार्यावळींत सतत अपेक्षा मांडप आनी दरेकलो तांचेकडेन जुळिल्लो आसा हाची खात्री करपा खातीर तात्काळ तपासणी पद्दत सुरू करप गरजेचें थारता.

### 5.7.2 शिश्य

शिश्यांनी मार्गदर्शन कार्यावळींनी वांटो घेवप आनी ताचो चडांत चड लाव घेवप म्हत्वाचें आसलें तरी तांकां नात्यां संबंदांत रावपाक प्रोत्साहन दिवप म्हत्वाचें. जायतीं मुळावीं कारणां आसूं येतात जाका लागून शिश्यांक मार्गदर्शन उपक्रमांनी वेळ घालपांत टाळाटाळेक वाट मेळटा. हाचो परिणाम मार्गदर्शक-शिश्य संबंदांच्या दर्ज्याचेर जाता आनी तो वेगवेगळया सहभागींनी केल्ल्या यत्नांचें मोल उणें करता. अशा टाळाटाळ केल्ल्या शिश्यांक मार्गदर्शन कार्यावळींतल्यान चडांत चड लाव मेळोवपा खातीर मार्गदर्शकान प्रेरीत आनी प्रोत्साहीत करूंक जाय.

### 5.7.3 मार्गदर्शकां भितर प्रेरणेचो उणाव

कार्यावळी खातीर योग्य संख्येन मार्गदर्शकांची निवड करप हें सर्वसादारण आव्हानांतलें एक जावन आसा. तें आव्हान म्हत्वाचें आसलें तरी मार्गदर्शकाची प्रेरणा आनी तज्ञताय दोनूय तितलींच म्हत्वाचीं. प्रेरणेच्या उणावाक लागून मार्गदर्शक संवादांत आनी प्रभावीपणांत उणे पडटले. हाका लागून शिश्यांक अपेशी मार्गदर्शन नातेंसंबंद आनी वायट परिणाम मेळटात.

देखून, कार्यावळीचे सुरवेक योग्य मार्गदर्शक वेंचप म्हत्वाचें थारता. हाचे वांगडाच, मार्गदर्शकाक योग्य प्रशिक्षण दिवप आनी त्या नातेंसंबंदाच्या पुराय काळांत तांचे कडेन संवाद सादप म्हत्वाचें थारता.

### 5.7.4 अतिरिक्त वा अपूर्ण संरचना

शिश्यांच्यो वैयक्तीक गरजो वळखप गरजेचें आसा. कांय शिश्यांक आनी मार्गदर्शकांक तरेकवार साधनां आनी संसाधनां मेरेन पावंक मेळिल्ल्याचें कवतूक आसतलें जाल्यार हेरांक तांचो वापर करपाक प्रवृत्त केले जाल्यार तांचेर दबाव येवंक शकता. हाचेर उपाय म्हणल्यार मार्गदर्शक/शिश्य हांकां आपापले गरजे आनी सोयी प्रमाणें संसाधनां मेळत अशे तरेन कार्यावळ रुपांकन संतुलीत करपाचो मार्ग सोदप.

### 5.7.5 दुर्लक्ष केल्ले तपासणेबिंदू

मार्गदर्शन कार्यावळीचे स्पश्ट तपासणेबिंदू मार्गदर्शकांक आनी शिश्यांक कार्यावळीची सुस्पश्ट सुरवात, मध्य आनी शेवट हांचे विशीं मार्गदर्शन दितात. ताका लागून मार्गदर्शक आनी शिश्य ह्या दोगांकूय समाधान मेळटा. देखीक, मार्गदर्शन संबंद प्रभावी पणान बंद जावंक नाशिल्ल्यान मार्गदर्शक आनी शिश्य उपरांत असमाधानी जावंक शकतात, गोंदळांत पडूं शकतात आनी शिकप कशें फुडें व्हरचें हाचेविशीं गडबडूं शकतात.

### 5.7.6 मार्गदर्शना विशीं गैरसमज

मार्गदर्शना विशीं कांय सामान्य गैरसमज आडमेळीं निर्माण करूंक शकतात. मार्गदर्शना विशीं सगळयाक पातळिल्लीं कांय मिथकां आडमेळीं हाडूंक शकतात आनी वांटेकारांक अणभवांतल्यान चडांत चड फायदो घेवपा पसून पयसावंक शकतात. साबार सामान्य मिथकांभितर हीं आसात:

- ”मार्गदर्शन ही एक वेळ खावपी प्रक्रिया"
- “वेवसाय वा वैयक्तीक जिवितांनी मार्गदर्शनाक मोल ना"
- "मार्गदर्शनाचो फायदो फकत शिश्यांक जाता, मार्गदर्शकांक न्हय"

कार्यावळीचे सुरवेक सुस्पश्ट भुमिका, जापसालदारक्यो आनी परिणाम हांचे सयत स्पश्ट अपेक्षा थारावप हे गैरसमज पयस करपाक मजत करता. योग्य नियोजन आनी आदार आशिल्ली खंयचीय मार्गदर्शन कार्यावळ बरोच काळ चालू उरपाक शकता आनी तिगून उरपी प्रभाव घालूं शकता. एकदां कार्यावळीक गती मेळळया उपरांत, मार्गदर्शनाची संस्कृताय रुजता आनी औपचारीक कार्यावळीं वांगडा अनौपचारीक मार्गदर्शन चड करून फुलता.

### 5.7.7 अनुपलब्ध मार्गदर्शन


खंयचीय मार्गदर्शन संरचना, मार्गदर्शन संवादांनी प्रवेशक्षमताय मतींत घेवन तयार करपाक जाय. देखीक, शाळे भितर मार्गदर्शन वैयक्तीक रितीन आनी थारायिल्ले वारंवारतायेन जावं येता, जाका लागून तें सगळया मार्गदर्शक आनी शिश्यांक सहज मेळटलें. पूण, देशव्यापी मार्गदर्शन कार्यावळीक उद्दिश्टां पुराय करपा खातीर तंत्रीक व्यासपीठा सारकिल्ले एके व्हडले साधन-सुविधेची गरज पडूं येता. पद्दती आनी माध्यमांचें रुपांकन करतना भौविद्याशाखी दिश्टकोण वापरून मार्गदर्शन चड सुलभ करूं येता.

## 5.8 कागाळ निवारण यंत्रणा

एनएमएम संबंदांतल्या कागाळींचें चड पारदर्शकतायेन वेवस्थापन आनी निवारण करपाक एनसीटीई कागाळ निवारण समिती स्थापन करतले. मार्गदर्शक/शिश्यांक येतल्यो अडचणी सोडोवपाक योग्य हस्तक्षेप सुरू करपाक तिची मजत जातली. हाका लागून शिश्य/मार्गदर्शका हांकां, मार्गदर्शन यंत्रणा तांच्या गरजांक चड प्रतिसादी जावंचेपासत  तांचे हुस्के आनी सुचोवण्यो सांगपाची संद मेळटली.

# पाठ VI

# राष्ट्रीय मार्गदर्शन साधन-सुविधा



# पाठ- VI: राष्ट्रीय मार्गदर्शन साधन-सुविधा


## 6.1 वळख

एनएमएमचो हेतू व्हडा प्रमाणांत मार्गदर्शन येसस्वीपणान स्थापन करपाचो आसा आनी हें तंत्रगिन्यान सक्षम करप अत्यंत म्हत्वाचें आसा. राष्ट्रीय मार्गदर्शन साधन-सुविधा (एनएमआय) मुक्त-स्रोत मॉड्यूलर बिल्डिंग ब्लॉकांचे संच म्हणून येवजिल्या, जी एनडीईएआर ची पुर्तताय करपी आसा आनी मापनीयताय आनी विस्वासपात्रताय हांचे खातीर उबारल्या. सद्याक मार्गदर्शन उपाय/प्रणाली दिवपा खातीर मुक्त नेमा प्रोटोकॉलांची व्याख्या केल्ली नाशिल्ल्यान जायते विच्छेदीत आनी विखंडीत मार्गदर्शन उपाय आसात. मार्गदर्शक सोदून काडपा खातीर शिश्य वेगवेगळे उपाय वा यंत्रणा वापरतात. बेकन डीएसईपी प्रोटोकॉलाचेर चालीक लायिल्ल्या युनिफाइड मेंटरिंग इंटरफेस (यूएमआय) ची व्याख्या करून आनी तिका सक्षम करून ही उणीव पयस करपाचो एनएमआयचो हेत आसा. विविध मार्गदर्शन सेवा आनी उपायांची परस्पर संचालन क्षमताय सक्षम करपाचो हेतू यूएमआयचो आसा, जाका लागून ओपन प्रोटोकॉलांच्या संचांतल्यान/विशिश्टताय आनी एका संवादांतल्यान विविध सेवांनी मार्गदर्शक आनी मार्गदर्शन कार्यावळींचो सोद उक्तो जातलो. नाविन्य, विविधताय आनी संदर्भीकरण हाडपा खातीर परिसंस्थेक उर्बा दिवप गरजेचें आसा. यूएमआय एक युनिफाइड मार्गदर्शन नेटवर्क (यूएमएन) म्हणचेच एकवटीत मार्गदर्शन संपर्कजाळाची निर्मणी शक्य करतलो, जंय परिवेवस्थेच्या वेगवेगळया भागधारकांक उपाय वापरपाक आनी तयार करपाक मेळटले तशेंच मार्गदर्शन वापराच्या प्रकरणांक मार्गदर्शन करपा खातीर तांच्या उपायां/सेवांची व्याप्ती वाडोवंक मेळटली.

मार्गदर्शक आनी शिश्य ह्या दोगांयच्या तरेकवार परिस्थितींनी मार्गदर्शन सेवा आनी उपाय आपणावपांत सोंपेपणां सुनिश्चीत करप हो एनएमआयचो उद्देश आसा. हीं खाशेलपणां ताच्या रुपांकनाच्या दर एका पांवड्यार ताचीं तत्वां आनी तंत्रगिन्यान घटकां सयत बळिश्ट करप जाता.

## 6.2 रुपांकन तत्वां

ह्या विभागांत, मुळाव्या रुपांकन तत्वांची आनी उत्कृश्ट पद्दतींची रूपरेषा मांडून एनएमआयच्या अंकीय साधन-सुविधात्मक पैलूंचेर भर दिलाः




आकृती 6.1: राष्ट्रीय मार्गदर्शन साधन-सुविधांचीं रुपांकन तत्वां.

**अ. मायक्रोसर्व्हिस आर्किटेक्चर ( सुक्षीमसेवा वास्तुकला) :** मापन (स्केल) आनी विविधताय सोडोवपा खातीर, मॉड्युलर सेवा गरजे प्रमाणें बांदीव आनी अबांदीव करूं येतात. हाका लागून बदलपी गरजो आनी परिस्थितीप्रमाणें शिथिलपणान जोडिल्ल्या सूक्ष्म सेवां वरवीं कार्यक्षमतेची उत्क्रांती शक्य जाता.

**आ. सुरक्षीत आनी विश्वासार्ह:** सुरक्षीत आनी गोपनीय वेवस्थापन करप म्हत्वाचें आसता आनी अशे तरेन तो रुपांकनांतलो एक म्हत्वाचो भाग थारता. ताच्या वापरप्यां खातीर डेटा सुरक्षा आनी गोपनीयतायेची खात्री करतना डेटा सक्षम करपा खातीर साधन-सुविधा तयार केल्या.

**इ. उक्तीं मानकां:** वेगवेगळया वापराच्या प्रकरणांक आदार दिता हाची खात्री करपा खातीर साधन-सुविधांच्या आराखड्या खातीर उक्तीं मानकां आनी आंतर क्रियाशीलताय गरजेची आसा. एनएमआय उक्ते प्रोटोकॉल आनी एपीआय वापरून तयार केल्लें आसा जे विशिश्ट प्लॅटफॉर्म, नेटवर्क तंत्रगिन्यान वा भाशां कडेन कसलीच आत्मीयताय नासतना आंतर क्रियाशिलतायेची खात्री करतात. आंतर क्रियाशीलताय उपलब्ध करून दिवपा खातीर मानकांचेर हें आदारिल्लें आसा. देखून, ओपन एपीआय एकठांय काम करपाक भोवजिनशी तंत्रज्ञानांचेर बांदिल्ल्या असंख्य विविध मार्गदर्शन उपायांक आदार दितले.

**ई. मापनीय (स्केलेबल) आनी लवचीक:** परिवेवस्थेंतल्या वापरप्यांचे व्हड संख्येन खातीर व्हड प्रमाणार करूंक शक्य करपा खातीर, प्रमाणीकरण आनी अत्युच्च मापना वरवीं कार्यावळींची मापनीयताय सुनिश्चीत जातली.

**उ. निरीक्षण क्षमताय:** साधन सुविधांतल्या मार्गदर्शन संवादा भोंवतणी आदान-प्रदान केल्ले मोलादीक म्हायतीची निरीक्षणीयताय पयसुल्ल्यान मेजमापणे (टेलिमेट्री) वरवीं पुंजायतले. शिश्य/मार्गदर्शकां भोंवतणच्यो सगळयो घडणुको नोंद करपाक आनी वापर करूंक तशेंच विश्लेशणा खातीर त्यो उपलब्ध करपा खातीर हें रुपांकीत केलां.

**ऊ. विश्वसनीय मंच:** साधन-सुविधांचो हेतू दोनूय पक्षांक- मार्गदर्शक आनी शिश्यांक बारीकसाणींचे तशेंच उद्देशपूर्ण मार्गदर्शन अणभव सुलभ करपाक एक विस्वासपात्र मंच दिवप हो आसा. विश्वासार्ह नोंदण्यांचो लाव घेवन आनी मार्गदर्शकांच्या अधिकृतीकरणाचेर योग्य परिश्रम आनी फाव ती काळजी घेवन मंचाचेर प्रमाणीत आनी सत्यापीत मार्गदर्शकांची निश्चिती करून हें साध्य करतात.

**ए. विकेंद्रीत आनी वितरीत:** नेटवर्काचो (संपर्कजाळाचो) भाग आशिल्ल्या वितरीत विस्वाशी संस्थां/भांडारांतल्यान डेटा मेळोवपाक आनी विनिमय करपाक अनुप्रयोग आनी उपाय सक्षम करपा खातीर साधन-सुविधा तयार केल्या.

**ऐ. प्लॅटफॉर्म थिंकिंग ( मंचीय विचारप्रणाली):** ही साधन-सुविधा भागींचे परिसंस्थेक (उपाय पुरवणदारांक) राष्ट्रीय पांवड्यार काम करपाक तांचे उपाय/सेवा तयार करपाक आनी विस्तारपाक परवानगी दिता.

**ओ. एकवटीत. एकसमान न्हय:** साधन-सुविधा उक्त्या मानकांचेर आदारीत आसा जी एकवटान काम करपाक सुविधा दिता आनी विंगड विंगड उपायांक एकठांय काम करपाक सक्षम करता.

**औ. परिवेवस्था सक्षमीकरण:** यूएमआय मार्गदर्शन उपाय/अनुप्रयोगांचे परिवेवस्थेक रिपॉझिटरींतल्यान डेटाचो फायदो घेवन आनी वापरप्याक सुलभतायेची एकल विंडो पुरवण करून एकठांय काम करपाक सक्षम करता.

अं. विस्तारशीलताय: साधन-सुविधा अशे तरेन केल्या कीं नेटवर्कांत (संपर्कजाळांत) सहजतायेन वांटो घेवपाक नव्या क्षमतायां/वस्तूंचो आसपाव करूं येता. विशिश्टिकरणाचें पालन केल्यार नव्या संस्थांक नेटवर्काची सद्याची क्षमताय आनी फायद्यांचो लाव घेवपाक मेळटलो.

अः. रुपांकनान समावेशी

i. **वापरप्यां खातीर आदार**


वापरप्यांच्यो परिस्थितीप्रमाणें आनी विविध गरजो पुराय करपा खातीर उपाय रुपांकीत करपाक साधन सुविधा आदार करता, देखीक, वेगवेगळ्या प्लॅटफॉर्मांचेर - फोन, वॅब, वेगवेगळ्यो भासो, आनी हेर

ii. **प्रणाली आनी प्रक्रिया**

आयज अस्तित्वांत आशिल्लीं ऍप्लिकेशनां, उपाय आनी सामुग्रे सयत वेगवेगळ्या प्रणालीं आनी प्रक्रियांक जोडपा खातीर आनी ताचो फायदो घेवपा खातीर साधन सुविधा घडयल्या.

## 6.3 मार्गदर्शक – शिश्य संवाद सक्षम करप


एनएमआय चो एक मुखेल हेत म्हणल्यार मार्गदर्शक आनी शिश्या मदीं अखंड समकाळी आनी असमकाळी मार्गदर्शन संवाद सक्षम करप. सार्वत्रीक सोद लावपाची तांक आनी विस्वास हांचे वरवीं संवाद सक्षम जातात आनी ते प्रतिसाद-चालीत आसतात. तंत्रज्ञानाच्या साधनसुविधांचेर सकयल दिल्लीं 6 मुखेल क्रियापदां सक्षम जातलीं –




6.2: तंत्रगिन्यान साधन सुविधांचेर सक्षम केल्लीं मुखेल क्रियापदां

## 6.4 तंत्रगिन्यानाचे घटक

रुपांकन तत्वां लक्षांत दवरून, एनएमआय वेगवेगळे तंत्रगिन्यान घटक दिता जे आपल्या वापरप्यांखातीर जायते मार्गदर्शन उपाय सक्षम करतात.




आकृती 6.3: एकिकृत मार्गदर्शन नेटवर्क (यू एम डब्ल्यू)- घटक पांवड्यावेली दृश्टी

**अ. शिश्य संवाद (ऍप/संकेतथळ/हेर उपाय):** शिश्य हे संवाद वापरून आपली आवड आनी गरजेचेर आदारीत मार्गदर्शक आनी सत्रां सोदून काडूंक शकतात. तांकां आवडटा त्या मार्गदर्शन कार्यावळींनी ते नोंदणी करूंक शकतात.

**आ. मार्गदर्शक संवाद (ऍप/वॅबसायट/हेर उपाय):** मार्गदर्शक हे संवाद वापरून शिश्यां कडेन संवाद/सत्रां घडोवन हाडटात. तशेंच वेळावेळार केल्ल्या वेगवेगळ्या संवादांची बारीकसाण आनी विश्लेशण तांकां मेळूं येता.

**इ. मार्गदर्शन वर्गीकरणः** एक राश्ट्रीय मार्गदर्शन वर्गीकरण तयार करतले आनी ताका राश्ट्रीय मुळाव्या साधन-सुविधांचो एक भाग म्हूण अंतर्भूत करतले. ह्या वर्गीकरणांत मार्गदर्शकाचीं खाशेलपणां, मार्गदर्शनाचीं क्षेत्रां आनी संवाद माध्यमां सारकिल्ल्या मुखेल पैलूंचो आस्पाव जातलो.

**ई. एकिकृत मार्गदर्शन संवाद (यूएमआय) गेटवेः** युएमआय वेगवेगळ्या मार्गदर्शक सेवां/उपायांची आंतर संचालनीयताय सक्षम करतलें आनी ताका लागून वेगवेगळ्या सेवांचेर मार्गदर्शकांचो/कार्यावळींचो सोद उगड जातलो. ओपन प्रोटोकॉलांचेर तयार केल्लें ओपन नॅटवर्क तयार करून शिक्षण/मार्गदर्शन सेवा सुव्यवस्थित करप हें युएमआयचें ध्येय आसा.

**उ. ऍप नोंदणीः** हातूंत इंटरफेस वापरपी सगळ्या मोबायल ऍप्लिकेशनांची, वॅब पोर्टलांची आनी हेर तरांची नोंदणी आसता.

**ऊ. सेवा नोंदणीः** हातूंत मार्गदर्शन प्रणालींची (ऍप्लिकेशनांची) नोंदणी आसता जांणी गेटवेची सदस्यता घेतिल्ली आसा.

**ए. बाह्य नोंदणीः** हातूंत परि वेवस्थेंतल्या प्रमाणीत मार्गदर्शकांची वेगवेगळी विकेंद्रीकृत विश्वासू नोंदणी (शिक्षणीक संस्था, राज्य विभाग आनी सीएसओ) आसपावता.

**ऐ. मार्गदर्शन सेवाः** मुळाव्या साधन-सुविधांचेर आशिल्ले हे सुक्षीम सेवेक लागून मार्गदर्शकांक आपल्या सत्रांची येवजण करप आनी मार्गदर्शक आनी शिश्य हांचे मदलो म्हत्वाचो संवाद हें शक्य जातलें.

## 6.5 एकिकृत मार्गदर्शन इंटरफेस

युएमआय हो बीईकेएन डीएसईपी तपशीलांचेर रचिल्ली नॅटवर्क इंटरफेस. हें नॅटवर्क वेगळया वेगळया पुरवणदारांक आनी गिरायकांक अखंडपणान संवाद करपाक परवानगी दिता.

### 6.5.1 सोद क्षमताय

सगळे मार्गदर्शक (अणभवी संसाधन व्यक्ती/निवृत्त प्राध्यापक/शिक्षक आनी हेर) आपल्या उपकरणांचेर हेर खंयचोय मार्गदर्शक ऍप्लिकेशन इंस्टॉल केल्लो आसूं-नासूं एकाच इंटरफेसाचेर दिश्टी पडटले आनी उपलब्ध जातले. हाका लागून वापरप्यांक संसाधनां कडेन जोडपा खातीर जायते ऍप्लिकेशन इंस्टॉल करचे परस एकाच प्लॅटफॉर्मा वयल्यान मार्गदर्शकांच्या व्हडल्या समूहा मेरेन पावपाक मजत जातली.

### 6.5.2 विस्वास

प्लॅटफॉर्माचेर वांटो घेवपी सगळयां मदीं विस्वास निर्माण जाता तेन्नाच प्रभावी मार्गदर्शन संवाद घडटा. वेगवेगळया शिक्षणीक संस्थां आनी राज्य खात्यां कडल्यान विस्वासू मार्गदर्शकांचे नोंदणे वरवीं विस्वास निर्माण जातलो. प्लॅटफॉर्माचेर आशिल्ल्या सगळया विस्वासू मार्गदर्शक प्रोफायलांक पडताळणेयोग्य शिफारसपत्र दितले.

## 6.6 एकिकृत मार्गदर्शन नॅटवर्क

एनएमआय च्या सतत विकास, वापर आनी सुदारणे खातीर एक परिवेवस्थात्मक दृष्टीकोन विचारांत घेतले. नवनिर्मिती, विविधताय आनी संदर्भात्मकताय हाडपा खातीर हे परिसंस्थेक उर्बा दिवप गरजेचें आसा. एनएमआय क वाव दिवपा खातीर आनी योगदान दिवपा खातीर परिवेवस्थेंतल्या वेगवेगळया सहभागींक उत्प्रेरित करपाचो यत्न युएमएन करतलो. अशे साधन-सुविधेक लागून भागधारकांचे परिवेवस्थेक वापरपाक, वयर उपाय तयार करपाक आनी मार्गदर्शनापासत वापरांतल्या प्रकरणांनी ते विस्तारावपाक मदत जातली. हो प्लॅटफॉर्म एक सर्वसमावेशक, समान, अखंड एकोडो उपाय म्हूण निर्माण केल्लो ना हाची खात्री करपा खातीर मुळ मानसिकतायेंतल्या बदलांतल्यान हें जालां.

हें नॅटवर्क तयार करपाक आनी तिगोवन दवरपाक सगळ्या संबंदीत भागधारकां वांगडा नेमान यत्न करतले. निर्माण खण्ड आनी ओपन प्रोटोकॉल हांचो आस्पाव आशिल्ल्या साधन-सुविधांचें तंत्रीक रुपांकन हें नॅटवर्क वाडत उरतलें हाची खात्री करतलें.

## 6.7 प्लॅटफॉर्म प्रशासन

एनएमआय चो फायदो घेवपी मार्गदर्शन कार्यावळीक अपेक्षीत परिणाम साध्य जाता हाची खात्री करपा खातीर प्रभावी प्रशासनाची गरज आसतली. सुशासन मेळोवपा खातीर सकयल दिल्ले निकश आनी प्रस्न सोडोवचे पडटले.

तकटो 6.1: निकश आनी प्रस्न

| निकश | प्रस्न |
|---|---|
| योग्यताय | • तंत्रज्ञानाची साधन-सुविधा वापरप्यांच्या थळाव्या आनी समाजीक-अर्थीक परिस्थितीं कडेन योग्य आनी सुसंगत आसा हाची खात्री तुमी कशी करता?<br>• प्लॅटफॉर्माचेर जावपी संवाद विधायक संवादांचेर तयार जाता हाची खात्री तुमी कशी करतात?<br>• मुळाव्या साधन-सुविधांचो फायदो घेवन प्रॉग्राम मालकांनी योग्य अभिप्राय यंत्रणा स्थापन केल्या हाची खात्री तुमी कशी करता? |
| तिगावक्षमताय | • प्लॅटफॉर्म, डेटा आनी हेरांची मालकी कोणा कडेन आसता?<br>• प्लॅटफॉर्माचो प्रभावीपणान वापर जाता आनी योग्य प्रतिसादाचो विचार जाता हाची खात्री तुमी कशी करता? हातूंत प्रशिक्षण कार्यावळी आनी प्रतिसाद यंत्रणेचो आस्पाव आसतलो |
| उत्क्रांतीक्षमताय | • तुमी एका परस चड व्यक्तींक मालमत्तेचें योगदान (देखीक, डेटा, सॉफ्टवॅर, सामुग्री आनी हेर) दिवपाक कशे सक्षम करतात?<br>• सेवा सोदून काडपाक आनी तिचो वापर करपाक तुमी कशे सक्षम करता?<br>• प्लॅटफॉर्माचो विस्तार तुमी कशे तरेन करतात? |

# पाठ VII
# प्रवास आनी फुडली वाटचाल



# पाठ VII: प्रवास आनी फुडली वाटचाल

## 7.1 एनएमएमचो प्रवास

भारत सरकाराच्या शिक्षण मंत्रालयाचो (एमओई) आदेश म्हूण 2021-22 वर्साच्या केंद्रीय अर्थसंकल्पांत एनएमएम ची घोशणा केल्ली. एमओई न फुडें हें काम करपाची जापसालदारकी एनसीटीई क दिली. एनएमएम च्यो पद्दती विकसीत करपा खातीर संशोधनांची एक माळ आयोजीत केल्ली. वेगवेगळया लाबधारकां कडल्यान सुचोवण्यो/अभिप्राय मागोवपा खातीर नोव्हेंबर 2021 त एनसीटीई च्या संकेतथळार आनी एमवाय जीओवी पोर्टलाचेर ब्लूबुक ऑन मेंटोरिंगाचो सुरवातीचो मसुदो दवरिल्लो. उपरांत देशभरांत शिक्षणतज्ञ, शिक्षणीक प्रशासक, शाळा, विद्यापीठां, शिक्षक उपदेशक, एससीईआरटी, डीआयईटी, प्राचार्य, शिक्षक, एनजीओ आनी हेर जाळवणदारां वांगडा 15 उकत्यो चर्चा घडोवन हाडल्यो आनी मुळाव्या पांवड्यावेल्यान मार्गदर्शन करपा खातीर ब्लूबुक तयार करपाक सुचवण्यो/कल्पना एकठांय केल्यो (संदर्भ. परिशिश्ट-4).

एनसीटीई न 29 जुलय 2022 ह्या दिसा देशभरांतल्या 30 केंद्र सरकारी शाळांनी (15 के. व्ही., 10 जेएनव्ही आनी 5 सीबीएसई) एनएमएम प्रायोगीक पद्दतीन सुरू केल्ले. 30 शाळांचे प्राचार्य आनी नोडल अधिकाऱ्यां वांगडा एनएमएम चेर 2 दिसांचो अभिमुखताय कार्यक्रम घेतिल्लो. एनसीटीई न वेगवेगळ्या क्षेत्रांतल्यान 60 मार्गदर्शकांक सामील केल्यात. वेंचून काडिल्ल्या 60 मार्गदर्शकां खातीर 2 दिसांची क्षमताय निर्माण कार्यशाळा घेतिल्ली. एनएमएम वॅब पोर्टल (संदर्भ. परिशिश्ट-V) सुरू केल्लो जो सोद, विस्वास आनी रचनात्मक प्रतिसादाचेर आदारीत प्रभावी मार्गदर्शन सत्रां चलोवपा खातीर इंटरफेस म्हूण काम करता. मार्गदर्शक संवाद प्रभावीपणान आनी कार्यक्षमपणान सुलभ करपाक मार्गदर्शकांक आदार करपा खातीर वेगवेगळे मॉड्यूल्स तयार केल्यात.

वयर दिल्ले, अंतर्गत सल्लो-मसलत, 15 उकत्यो चर्चा, प्रायोगीक पद्दतीन मेळिल्लीं म्हायती, हेर जाळवणदारां कडेन केल्ली चर्चा आनी संपर्क कार्यावळींचो परिणाम म्हूण मेळिल्ल्या प्रतिक्रियांचो/सुचोवण्यांचो आस्पाव करून एनएमएम वयल्या ब्लूबुकाक अंतिम रूप दिलां. एनएमएम ची अंमलबजावणी, देखरेख आनी विश्लेशण सुलभ करपा खातीर एनसीटीईंत नॅशनल सेंटर फॉर टीचर क्वॉलिटी (एनसीटीक्यू) हो डिजिटल प्लॅटफॉर्म स्थापन केला. एनसीटीक्यू वरवीं युएमआय चलयतले.

## 7.2 फुडली वाटचाल

शिक्षकांचे वेवसायीक वाडी खातीर आनी उदरगती खातीर एनएमएम हो एक मोलादीक उपक्रम जावन आसा. मार्गदर्शकांचें काम म्हणल्यार आपल्या शिश्यांक मार्गदर्शन, आदार आनी तज्ञताय हांचें गिन्यान दिवप. गिन्यानाचें आदान-प्रदान, सहकार्य आनी चिंतन करपाचें हें एक व्यासपीठ. एनएमएम खातीर अंमलबजावणी येवजणेची संकल्पना सकयल दिल्ल्या प्रमाण केल्याः

**मार्गदर्शन उपाय निर्मिती/शिश्यां खातीर एकात्मभाव :**

- कार्यावळीचीं संसाधनां / सहाय्यक साहित्य, एसओपी आनी हेर, जांची मार्गदर्शन कार्यावळींक गरज पडटली तें निर्माण करप.

**एनएमएम कार्यावळीचो आरंभ**

- 1000 मार्गदर्शकांचो एक समूह निर्माण करप
- मार्गदर्शकां खातीर मार्गदर्शन साधनां निर्माण/ अणकारीत करप
- केआरपी/ मार्गदर्शकांची क्षमताय वाडोवप
- मार्गदर्शकांक बिगर-अर्थीक राष्ट्रीय पुरस्कार/प्रमाणपत्रां दिवन/ तीं एनपीएसटी कडेन जोडून प्रोत्साहन दितले

**एनसीटीई कडल्यान संशोधन आनी पुनरावलोकन**

- कार्यावळीचें सतत मूल्यमापन करप
- मार्गदर्शक आनी शिश्य हांचे कडल्यान अभिप्राय

आकृती 7.1: फुडली वाटचाल

# संदर्भ

Hansman, C. A. (Ed.). (2002). Critical perspectives on mentoring: Trends and issues. ERIC Clearinghouse on Adult, Career, and Vocational Education, Center on Education and Training for Employment, College of Education, the Ohio State University.

Knowles, M. S. (1980). The modern practice of adult education: From pedagogy to andragogy. Englewood Cliffs, NJ: Cambridge Adult Education.

Kukreja, S., Arora, R., Mahajan, R., & Singh, T. (2020). Mentorship Program: Modern Outlook of Traditional Knowledge. International Journal of Applied and Basic Medical Research, 10(2), 65–67. https://doi.org/10.4103/ijabmr.IJABMR_109_20

Ministry of Human Resource Development. (2020, July 29). National Education Policy 2020. www.Education.Gov.In; Government of India.

https://www.education.gov.in/sites/upload_files/mhrd/files/NEP_Final_English_0.pdf#page =29&zoom=100,97,630

National Institute of Technical Teachers Training and Research. (2020, September). Making Mentoring Relevant: NEP 2020 PERSPECTIVE. NITTTR (nitttrc.ac.in); National Institute of Technical Teachers Training and Research. Retrieved from ReportonMakingMentoring.pdf (nitttrchd.ac.in)

National University of Educational Planning and Administration (NUEPA) New Delhi, Teachers in the Education System, How We Manage the Teacher Workforce in India. (2016).http://www.niepa.ac.in/download/Research/Teachers_in_the_Indian_Education_System.pdf

National University Of Educational Planning And Administration (NUEPA) (2014) School Leadership Development National Program Design and Curriculum Framework. National University of Educational Planning and Administration (NUEPA). https://www.education.gov.in/en/sites/upload_files/mhrd/files/upload_document/SLDP_Framework_NCSL_NUEPA.pdf

Parsloe, E., & Leedham, M. (2009). Coaching and mentoring: Practical conversations to improve learning. Kogan Page Publishers. Retrieved from https://rb.gy/9e732 Soka Gakkai. (2020). The Oneness of Mentor and Disciple. Soka Gakkai (Global).

https://www.sokaglobal.org/resources/study-materials/buddhist-concepts/the-oneness of mentor-and disciple.html#:~:text=In%20Buddhism%2C%20which%20is%20concerned, to%20free %20them%20from%20suffering

Together Platform. “Mentor Handbook.” Together Platform, https://www.togetherplatform.com/handbook/mentor. Accessed 16 Aug. 2021

# परिशिश्ट

**I. मार्गदर्शक निवडी खातीर रचनात्मक रुपांकन**

मार्गदर्शक निवड प्रक्रिये खातीर शिफारस केल्ली रचना.

**II. मार्गदर्शकाच्यो भुमिका आनी जापसालदारक्यो**

मार्गदर्शन कार्यावळी खातीर मार्गदर्शकाची भुमिका आनी जापसालदारकी हांची वळेरी तयार करतना सल्लो-मसलत करपाचें एक नमुनेदार साधन.

**III. 15 एनएमएम खातीर उकती चर्चा**

**IV. एनएमएम वॅब पोर्टल**

*परिशिश्ट– I*

*मार्गदर्शक निवडपा खातीर रचनात्मक रुपांकन*

# मार्गदर्शन कार्यावळी खातीर

*मार्गदर्शकाची निवड करप*

**उद्देश:** मार्गदर्शक निवडपा खातीर छाननी प्रक्रिया रुपांकीत करप आनी चालीक लावप

*हे खातीर रुपांकीत केल्लें:*


**प्रोग्राम रुपांकनकार**


**प्रोग्राम वेवस्थापक**

आदर्श मार्गदर्शकाभितर कांय खाशेले गूण आसतात, जाका लागून मार्गदर्शक आनी शिश्य दोगांयकय नातें संबंदाचो चडांत चड फायदो मेळूं येता.

## मार्गदर्शकांचे गुणधर्म


**विविधताये विशीं जागृताय**


**प्रभावी संवाद**


**समभाव**


**अणभव**


**लवचीकपण**


**प्रेरणादायक**


**फुडारपणाचीं कसबां**


**तज्ञताय**


**चिंतन**


**विश्लेशणात्मक विचार करप**


**सृजनशीलताय**

एक छाननी प्रक्रिया वापरून, संभाव्य मार्गदर्शकांची गुणधर्मां खातीर चांचणी करपाक जाय. कार्यक्रम खंयच्या प्रमाणांत कार्यान्वित करपाची गरज आसा तें लक्षांत दवरून छाननी प्रक्रियेचें रुपांकन करपाक जाय. उपलब्ध साधन-सामुग्री आनी अर्जदार गटाच्या आकारमानाचेर आदारून, निवड प्रक्रियेंत तंत्रज्ञानाचेर आदारिल्ल्यो डेटा-संकलन पद्दती आनी प्रत्यक्ष उपक्रम आनी मुलाखती हांचो संयोग आसपाक शकता.

# मार्गदर्शन कार्यावळी खातीर

*मार्गदर्शकाची निवड*

## अर्ज फॉर्म



लोकसंख्याशास्त्रीय तपशील, आदले अणभव, तज्ञतायेचे पुरावे आदी संबंदान म्हायती एकठांय करपा खातीर सुरवातीचें अर्जीपत्र वापरपाक जाय.

अर्जीपत्रांत मार्गदर्शकांचो दृष्टीकोन/ ऑनलायन शिक्षणाचे स्थितींत आव्हानां सोडोवपाची तांक तपासपा खातीर निदान-विशय अभ्यासाचोय आस्पाव आसूं येता. अर्जदारांचें मुल्यांकन करपाक (व्हड प्रमाणांत कार्यावळी; उण्या संसाधनांची उपलब्धताय) अर्जीपत्र हें एकूच साधन आसूं येता वा मुलाखती वांगडा (ल्हान प्रमाणांत कार्यावळी; संसाधनांची उपलब्धताय भरपूर) मेळून वापरूं येता

## संवाद/मुलाखत



अर्जदाराक चड व्यक्तिपरकपणान समजून घेवपाक आनी अर्जीपत्रावयल्यान चांचणी करपाक कठीण आशिल्ल्या कांय कसबांचें विश्लेशण करपाक मुलाखत मदत करूंक शकता. तातूंत अर्जदारांच्या संवादात्मक खासशेलपणांची जशें कीं सावधानताय, स्वयंसक्रियताय, विश्लेशणात्मक तर्क आदीं ची परिक्षा करपी प्रस्न आसूं येतात,

ऑनलायन फॉर्म, संबंदीत आंकडेवारी वेवस्थापन प्रणाली, व्हिडियो कॉन्फरन्सिंग साधनां आनी हेर साधनांचो वापर अर्ज होस्ट करपाक, तांचें मुल्यांकन करपाक आनी विश्लेशण करपाक करूं येता.

# मार्गदर्शन कार्यावळी खातीर

*मार्गदर्शकाची निवड*

**लोकसंख्याशास्त्रीय तपशील.**

- नांव.
- संपर्क म्हायती (फोन/पत्तो/ईमेल)
- भाशेची प्रवीणताय
- संलग्न संस्था (नांव, शार, राज्य, देश)

**अणभव**

- सद्याची भुमिका/पदनाम.
- ह्या मळावयलो काम करपाचो अणभव
- सद्याचे भुमिकेंत काम करपाचो अणभव)

**गिन्यान आनी निपुणताय**

- प्राविण्य तपासपा खातीर मार्गदर्शन कार्यावळीचे नेमिल्ले सामुग्रेचेर आदारीत प्रश्नावळ-
- अध्यापनाच्या वा शिकोवपाच्या माध्यमांतल्यान मार्गदर्शन कार्यावळीचो आशय हाताळपाच्या आदल्या अणभवाचो पुरावो
- ह्या मळार मेळिल्ले संबद्ध पुरस्कार, भोवमान, प्राविण्य

**स्वयंसक्रीयताय**

तांकां मार्गदर्शक जावपाची इत्सा कित्याक आसा हाचे विशीं स्पश्टीकरण मागपी निबंद/ मुलाखतींतले प्रस्न

- कार्यावळींत अर्ज करपाचो तांचो हेतू कितें?
- कार्यावळींत ते कितें हाडटले?
- हे कार्यावळीचो तांकां कसो फायदो जातलो?
- हे कार्यावळीचो शिक्षण वेवस्थेक कसो फायदो जातलो अशें तांकां दिसता?

**सावधानताय आनी विचारीपण**

मार्गदर्शन कार्यावळी वरवीं सोडोवपाच्या संबद्ध समस्याचे ठळकपणान दाखोवपी निदान-विशय अभ्यास.

अर्जीपत्रांत वा प्रत्यक्ष विचारिल्ले फाटपुरवणेचे प्रस्न भोव-पर्यायी वा सापेक्ष आसूं येतात, जे तांची ह्या संबंदांतली तांक तपासपीः

- आव्हानां वळखप,
- उचीत आदार रुपांकीत करता
- सुचोवण्यो आनी अभिप्राय घडोवप
- समस्या सोडोवप
- फुडारपणाच्यो वेगवेगळयो शैली समजून घेवप
- असहमती आनी निश्क्रीयताय हाताळप आनी
- जापो न येवप हाताळप

**प्रेरणादायी आनी उत्प्रेरक**

ते आपल्या पंगडाक सतत शिकपाक आनी सुदारपाक कशे प्रेरीत करतात हाचे विशीं अभिव्यक्ती मागपी व्हिडियो प्रॉम्प्ट/ मुलाखतींतले प्रस्न. तो प्रतिसाद अर्जदारांच्यो ह्यो क्षमतायो तपासपी जायः

- स्पश्ट उच्चारण
- देह-बोलयेचो योग्य वापर
- ह्या प्रस्नाची जाप दितना केल्लें पुरोशें वर्णन
- चिंतनशील विचार प्रदर्शीत करप
- उर्जावान वक्तृत्व
- प्रेरणादायी कथाकथन

*परिशिश्ट- II*

*मार्गदर्शकाच्यो भुमिका आनी जापसालदारक्यो*

# मार्गदर्शन कार्यावळी खातीर

*मार्गदर्शकाच्यो भुमिका आनी जापसालदारक्यो*

**उद्देशः** यशस्वी मार्गदर्शन नातें संबंदांचे नदरेन मार्गदर्शकाच्यो भुमिका आनी जापसालदारक्यो वळखप.

**भुमिका:**

शिश्या कडेनचर्चेंतल्यान मान्य जाल्ल्या विशिश्ट ध्येयां आनी उद्दिश्टांचेर आदारून मार्गदर्शक शिश्याक मार्गदर्शन, सल्लो, प्रतिक्रिया आनी आदार दितात.


**जापसालदारक्यो**



**तयारी करप**



**आदार करप**



**वाडप/वाडोवप**


- शिश्यांक नेमान मेळपाची आनी मार्गदर्शन सोंपपाच्या कबूल केल्ल्या वेळा मेरेन नातें संबंद वाडोवपाची वचनबद्दताय.
- गोपनीयताय तिगोवन दवरपी आनी शिश्य आनी मार्गदर्शकाच्या मर्यादांचो सन्मान करपी सुरक्षीत आनी आदारी अवकाश तयार करून शिश्या कडेन विस्वासू नातेंसंबंद निर्माण करप.
- शिश्य आपली वाड, उदरगत आनी कारकिर्द नियोजनाची जापसालदारकी घेयत अशें करूंक शिश्याच्या फुडाकारान नातेंसंबंदां खातीर एक अवकाश निर्माण करप.
- शिश्य आनी मार्गदर्शन उपक्रमांचो/चे पर्यवेक्षक हांचे कडेन मेकळो संवाद दवरप.



**तयारी करप**



**आदार**



**वाडप/ वाडोवप**

- 'शिश्याच्या सांगातान, ताचेकडल्या नातेंसंबंदां खातीर ताचीं सुस्पश्ट ध्येयां आनी उद्दिश्टां स्थापीत करप आनी ते कल्पनेक धरून एके कृती येवजणेचे दिकेन ताका मार्गदर्शन करप.
- आपल्या स्वताच्या प्रवासाचेर चिंतन करप आनी आपल्या शिश्यांकडेन तज्ञताय सामायीक करूंक, लागू जातलीं उदाहरणां स्पश्ट करप.

# मार्गदर्शन कार्यावळी खातीर

*मार्गदर्शकाच्यो भुमिका आनी जापसालदारक्यो.*


- एके समस्येक धरून विचारशील संभाषणांक प्रोत्साहन दिवन शिश्यांच्या गटांक प्रभावीपणान मार्गदर्शन करप.
- आपल्या वेगवेगळया शिश्यांच्या दिश्टकोनांतली विविधताय समजून घेवप आनी तिची कदर करप.
- शिश्यां कडेन जातल्या मतभेदांचेर चर्चा करूंक तांकां प्रोत्साव दिवन, मतभेद मान्य करून तातूंतल्यान सांबाळून घेवन, वाट काडप.
- ते समस्ये विशींची तांची समज स्पश्ट करूंक सोद घेवपी प्रस्न ("कशें" आनी "कितें" रुपाचे प्रस्न) विचारप.
- शिश्याचें उलवणें सक्रीयपणान आयकप आनी आपलें आयकून (समजून) घेता ही भावना शिश्यांक दिवप.
- शिश्यांक झेपत अशीं आव्हानां दिवन तांकां सद्याचे प्रस्न सोडोवंक सशक्त करप तेच भशेन फुडारा पासत जुळोवन घेवपाच्यो रणनिती तयार करप हांतूंतल्यान तांकां सुदारपाचे दिकेन कामाक लावप.
- शिश्यांच्या गरजां प्रमाणें शिश्यांक आदारांत वेगळावणी करप.
- प्रामाणीक, स्पश्ट, सकारात्मक आनी रचनात्मक प्रतिक्रिया दिवप.
- वेवसायीक उदरगतीचे उपक्रम वळखुपाक, गरजे प्रमाणें योग्य संसाधनां आनी हेर मार्गदर्शकां कडेन संपर्क आनी जाळजोडणी करपाक शिश्यांक मदत करप.
- शिश्यांक तांचे सह-निर्मीत कृती येवजणे खातीर जापसालदार थारावप आनी नियमीत अंतरान कृती येवजणेचो नियाळ घेवप.



**तयारी करप**



**आदार**



**वाडप/वाडोवप**

- आपली नोकरी आनी आपल्यो मार्गदर्शन जापसालदारक्यो हांचे मदलें वेळाचें वेवस्थापन प्रभावीपणान करप.
- प्रशिक्षण, प्रतिसाद चक्रां आदीं वरवीं मार्गदर्शन कसबां निर्माण करपाक आनी सुदारपा खातीर वेवसायीक विकासांत वांटो घेवप.

***परिशिष्ट-III***

***15 एनएमएम खातीर उकती चर्चा***

## एनएमएम विशींच्या उकत्या चर्चांची वळेरी

| अनुक्र. | संस्था/विद्यापिठाचें नांव. | चर्चेची पद्दत | तारीख | आस्पावल्लीं/ल्ले राज्यां/केंद्रशासीत प्रदेश |
|---|---|---|---|---|
| 1. | कॉटन विद्यापीठ गुवाहाटी, आसाम | प्रत्यक्ष | 16.11.2021 | आसाम, अस्तंत बंगाल, अरुणाचल प्रदेश. |
| 2. | एससीईआरटी गॅन्गटोक, सिक्किम मिस्रीत | मिस्रीत | 10.12.2021 | सिक्किम, मिझोरम |
| 3. | ससीईआरटी जम्मू आनी काश्मीर | मिस्रीत | 13.12.2021 | जम्मू आनी काश्मीर आनी लडाख |
| 4. | एससीईआरटी पटना, बिहार | मिस्रीत | 15.12.2021 | बिहार, झारखंड |
| 5. | दिल्ली विद्यापीठ, | प्रत्यक्ष | 16.12.2021 | दिल्ली, हरियाणा |
| 6. | बनस्थली विद्यापीठ, राजस्थान | मिस्रीत | 17.12.2021 | राजस्थान |
| 7. | उस्मानिया विद्यापीठ, हैदराबाद | मिस्रीत | 18.12.2021 | तेलंगणा, आंध्रप्रदेश |
| 8. | एससीईआरटी पुणे, महाराष्ट्र | मिस्रीत | 28.12.2021 | महाराष्ट्र, गोंय |
| 9. | इंडियन इन्स्टिट्यूट ऑफ टीचर एज्युकेशन, गांधीनगर, गुजरात | प्रत्यक्ष | 30.12.2021 | गुजरात |
| 10. | बनारस हिंदू विद्यापीठ वाराणसी | मिस्रीत | 12.01.2022 | उत्तरप्रदेश |
| 11. | एससीईआरटी भोपाळ | मिस्रीत | 17.01.2022 | मध्यप्रदेश |
| 12. | एससीईआरटी हिमाचल प्रदेश | मिस्रीत | 20.01.2022 | हिमाचल प्रदेश |
| 13. | एससीईआरटी पंजाब | मिस्रीत | 24.01.2022 | पंजाब |
| 14. | हरियाणा केंद्रीय विद्यापीठ | मिस्रीत | 04.03.2022 | हरियाणा आनी चंडीगढ |
| 15. | पुड्डुचेरी शाळा शिक्षण संचालनालय | प्रत्यक्ष | 07.03.2022. | पुड्डुचेरी |

*परिशिष्ट-IV*

*एनएमएम वॅब पोर्टल*

## मार्गदर्शकां खातीर एनएमएम वॅब पोर्टल

### 1. लॉग इन





Sangita Pradhan

★★★★★

**Language(s) Known**

| Sr. No. | Language | Speak | Read | Write |
|---|---|---|---|---|
| 1. | Hindi | ☑ | ☑ | ☑ |
| 2. | Marathi | ☑ | ☑ | ☑ |
| 3. | English | ☑ | ☑ | ☑ |

| | |
|---|---|
| Registration No. | MTR000064 |
| Full Name | Sangita Pradhan |
| Email | sangita********@gmail.com |
| Contact Number | 954******* |
| Gender | Female |
| Address | Ganganagar, Rajasthan |
| **Languages** | **English** |
| **Role** | **Teacher (Primary)** |
| **Area of Mentoring** | **Instructional Leadership Skills - Social Science** |
| **Professional Experience (in years)** | **15+** |

**About Yourself**

Credited with extensive experience and professionalism having numerous key responsibilities in the field of education. Around 20 years of experience as an art educator. Always been passionate about teaching, focussed on vigorous planning & implementation at both State and National levels in various capacities. More..

**Current Work Status**

Working

**Name of the organisation/school**

(If retired, please mention the name of the school/organisation last worked at)

**Kendriya Vidyalaya, Ganganagar**

Click Here to Update your Profile

# शिश्यां खातीर एनएमएम वॅब पोर्टल

1. शिश्य नोंदणीकरण



## 2. शिश्याची वळख

### Mentee Profile

**Basic Information** | **Language Proficiency** | **Mentoring Required For**

| | | | |
|---|---|---|---|
| Registration No. | 4 | | |
| First Name* | Somit | Last Name | Mishra |
| Gender* | Male | Email ID* | ncte.mentee@gmail.com |
| Mobile Number * | 888888888 | State* | ASSAM |
| District / City* | GUWAHATI | Pin Code* | 781022 |
| Organisation Type* | Central Board of Secondary Education ( CBSE ) | Name of the School/Institutions* | Kendriya Vidyalaya, Khanapar |
| Your Experience in years* | 6-8 | | |
| Language* | English x Dogri x + Add | | |
| Stage* | Primary x Select | | |
| Role* | Teacher (Primary) x Teacher (Upper Primary) x Teacher (Secondary) x + Add | | |

Update

Somit Mishra

## Feedback for Mentor: Sangeeta Pradhan (Instructional Leadership Skills-Social Science)

**On a Scale of I to V, V being the highest**

| Sr. No. | Questions | V | VI | III | II | I |
|---|---|---|---|---|---|---|
| 1. | How effective was the mentor in providing guidance and support during your interactions? | 0 | 0 | 0 | 0 | 0 |
| 2. | How much did the mentor challenge you to think critically and independently? | 0 | 0 | 0 | 0 | 0 |
| 3. | How effective was the mentor in providing guidance and support during your interactions? | 0 | 0 | 0 | 0 | 0 |
| 4. | To what extent was the mentor able to create a comfortable and safe environment for open communication and learning? | 0 | 0 | 0 | 0 | 0 |
| 5. | Refrain from encouraging mentees to ask questions during the discussion | 0 | 0 | 0 | 0 | 0 |

**Other Remarks (If any)**

It was an insightful learning experience. The mentor was supportive throughout the session.

राष्ट्रीय अध्यापक शिक्षा परिषद्
(भारत सरकार का एक सांविधिक निकाय)

National Council for Teacher Education
(A Statutory Body of the Government of India)

By e-mail / Hand / Speed Post / Fax

File No. NCTE-Acad013/3/2021-Academic Section-HQ 20th September 2021

**OFFICE ORDER**

In supersession to office order of even number dated 31st August 2021, a Committee is constituted to work out the modalities for the creation of a national document and an online platform for Mentoring in Teacher Education at National Council for Teacher Education (NCTE) under National Mission for Mentoring. The details of the committee are given below:

| S. No. | Name and Organization | Designation |
|---|---|---|
| 1. | **Prof. S.C. Roy,** North Eastern Regional Institute of Education, Shillong | Chairperson |
| 2. | **Dr. Ashok Pandey,** Director, Ahlcon International School, Mayur Vihar Phase 1 Delhi | Member |
| 3. | **Prof. Sharad Sinha,** NCERT | Member |
| 4. | **Ms. Kalpana Kapoor** Educationist, Mentor and Leadership Coach | Member |
| 5. | **Shri Sushant Tharappan** Head, Infosys Leadership Institute | Member |
| 6. | **Shri Jagdish Babu,** Chief Operating Officer, Ekstep Foundation. | Member |
| 7. | **Shri Sanjay Purohit,** Chief Curator, Societal Platform | Member |
| 8. | **Dr. Amina Charania,** Associate Professor, Tata Institute of Social Sciences, Mumbai | Member |
| 9. | **Ms. Khushboo Awasthi** Chief Operating Officer, ShikshaLokam. | Member |
| 10. | **Shri Sushil Bhardwaj** State co-ordinator, Punjab | Member |
| 11. | **Shri Abhimanyu Yadav,** Section Officer, National Council of Teacher Education, New Delhi | Convener |

Cont. 2/-

जी-7, सेक्टर-10, द्वारका, नई दिल्ली -110075
G-7, Sector-10, Dwarka, New Delhi - 110075
Phone : +91-11-20893266, Fax : +91-11-20893270 Email : ms@ncte-india.org
Website : www.ncte.gov.in

-2-

| | | |
|---|---|---|
| 12. | **Ms. Monika Mishra**<br>Academic Consultant, NCTE | Co-convener |
| 13. | **Ms. Shailla Draboo**<br>Academic Consultant, NCTE | Co-convener |

**2. The Terms of Reference (ToR):**

i. Various sub-committees may be formed from among these members by the chairperson of the committee as per need.
ii. Identification of the focus areas and structured planning for mentoring including formulation of programmatic norms for the effective implementation of the mission as per the directive of NEP 2020.
iii. Formulation of norms for cross linking of experts from school to college.
iv. Review of data and membership received through digital consultation /institutional consultation.
v. Development of the manual on National Mission on Mentoring (NMM) containing guidelines for the prospective mentors and mentees which may be adapted/ adopted by the states /UTs in their own chapters of State Mentoring Mission.
vi. Setting up of Data Strategy Center for the NMM, at the national and regional levels in the headquarters of the National Council for Teachers Education (NCTE).
vii. Preparation of the short term and long-term mentoring manual on Indian languages and subjects specifically for underrepresented population targets groups etc.
viii. Formulation of guidelines for tapping up the potential of senior experienced and retired teachers and also include experts drawn from different sections of societies including professionals from different sectors such as engineering, medical, subject expert teachers, defense personnel, craft persons, trade persons music and dance practitioners etc.
ix. Developing and designing of platform for mentoring including matching of mentor and mentees, agreement and certainty matrix.
x. Chalking out the strategies for reaching out to the target audience of NMM, monitoring and their communication process.
xi. The detailed plan of Action on pilot run of NMM and development of the framework for the national level pool of mentors and mentees.
xii. The Chairperson of the Committee may co-opt other experts to the committee as per need.

2. The committee is expected to submit the complete report along with a plan of Action within a period of 3 months from 31st August 2021.

Cont. 3/-

-3-

3. The NCTE shall provide secretarial assistance for holding of virtual and face to face meetings of the committee and arrangements for payments of TA /DA /Sitting charges as per NCTE norms.

This has the approval of the competent authority.

**(Kesang Y. Sherpa, IRS)**
**Member Secretary, NCTE**

**Copy to:**

1. PS/SO to CP/MS for information please.
2. Deputy Secretary /Under Secretary GA/Academics/Accounts, NCTE
3. Copy to all members etc.
4. Guard /Office file.

**परिच्छेद 15.11, एनईपी 2020**

शाळेच्या शिक्षकांक अल्पकाळी आनी दीर्घकाळी मार्गदर्शन/वेवसायीक आदार दिवपाक तयार आशिल्ल्या नामनेच्या वेवसायिकांचो व्हड समूह घेवन मार्गदर्शन करपा खातीर एक राष्ट्रीय मोहीम स्थापन करतले.

Language consultancy and translation facilitated by

**National Translation Mission**

Central Institute of Indian Languages, Mysore

गुरूर्गुरूतमो धाम

NCTE

# राष्ट्रीय शिक्षक शिक्षण परिशद

(भारत सरकाराची एक सांविधीक संस्था)

**National Council for Teacher Education**

(A Statutory Body of the Government of India)